मुक्ती

रवीन्द्र केळेकार

K. Gokuldas Prabhu,
CORPORATION BANK
No. 250 Brough Road,
E R O D E - 638001.

मुक्ती

‘ पिसोळें ’ आनी ‘ लीग ’

(तीन एक आंकी खेळ)

रचपी

रवीन्द्र केळेकार

जाग प्रकाशन

ह्या पुस्तकांतलो खंयचोय खेळ माचयेर हाडूंक सोदतल्यांनी आदीं बरप्याची लिखीत मान्यताय घेवंची पडटली.

जाग प्रकाशन : १६

पयलें उजवाडावप : नोव्हेंबर, १९७५

© सौ. गोदुबाय केळेकार

मोल : रु. ४-००

उजवाडावपी :
सुमन्त रामचन्द्र केळेकार
जाग प्रकाशन,
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय

छापपी :
य. गो. जोशी
आनंद मुद्रणालय
१५२३, सदाशिव
पुणे, ३०.

पयलीं उतरां

'मुक्ती' हो खेळ क्लॉड हॉटनची 'द मास्कस् अ‍ॅण्ड द फेसिस्' नांवाची कथा आनी एडवर्ड आल्बीचें 'द झू स्टोरी' नांवाचें नाटकुलें हांचो आधार घेवन बरयला.

'पिसोळें' आनी 'लीग' ह्या खेळांक दोन गुजराती नाटकुल्यांचो आधार घेतला.

पुराय मेकळीक घेवन बरयल्ल्यान म्हज्या नांवार हे तिनूय खेळ म्हाका खपोवचे पडटात. हरशीं हातूंत जें भांगर आसा तें म्हजें न्हय. म्हजें कसब कितेंय आसलें जाल्यार तें फकत शेटिचें.

शाळा कॉलेजांनी करपा खातीर मदीं मदीं कांय जाण खेळ मागूंक येतात. तांकां रिकाम्या हातांनीं परते धाडचे न्हय म्हुण हे कोंकणींत रचल्यात. तांकां ते मानवले जाल्यार म्हाका खोस भोगतली. हांतलो खंयचोय खेळ माचयेर हाडपाचो थल्लो जाल्यार उजवाडावप्याची वा बरप्याची लिखीत परवानगी मात् ताणीं घेवची पडटली.

'मुक्ती' हो खेळ Schisophrenia जाल्ल्या एका मनशाची कथा इतलें हो खेळ बसयतल्यांनीं लक्षांत धरचें.

प्रियोळ : १४-११-१९७५ रवीन्द्र केळेकार

मुक्ती

संवगां :

जना : एक बरो शिकिल्लो मनीस. निकतोच मानिकोमींतल्यान परतला. पिराय चाळिसांच्या अदमासाची. भेस : काल्सांव, बुशशर्ट, जोतें, माश्यार बॉने. चार दिसांचें खाड वाडलां.

पांडू : मदल्या वर्गांतलो एक मनीस. बँकेत नोकरी करपी. पिराय चाळिसांपरस उणी. भेस : काल्सांव, बुशशर्ट, बूट. मातसो टीपटॉप. दोळ्यांर ऑक्ल. चेन-स्मोकर.

(पणजे कांम्रा जार्दीत आयताराची एक सांजवेळ.

पड्डो वयर सरता तेन्ना स्टेजीर दोन बांक दिश्टी पडटात. बांकां फाटल्यान फुलांचीं झाडां.

पांडू तोंडांत सिगार घेवन एका बांकार बसला. एक पुस्तक वाचता. मदींच पुस्तकांत कुरू घालून खीणभर तें बांकार दवरता. बोल्सांतलो लेंस काडून ऑक्ल पुसता. परतें पुस्तक वाचपाक लागता.

जना येता. पांडूक बांकार बशिल्लो पळेता आनी ताच्या म्हन्यांत वचून उबो रावता.)

जना : हांव आल्तीन्यावयल्यान आयलां (पांडूचें लक्ष ना) आयकलें हांव कितें म्हणटां तें ? हांव आल्तीन्या वयल्यान आयलां.

पांडू : (भानार येवन) कितें....म्हाका म्हळें ? (जनाक अजापान पळेता)

जना : हय, तुकाच. हांव आल्तीन्या वयल्यान आयलां. समजलें ?

पांडू : समजलें.

जना : खंयच्यान काय म्हुण विचाल्लें ना.

पांडू: (बुचकळ्यांत पडून) खंयच्यान ?

जना : तुका कितें दिसलें, हांव चीफ-मिनिस्टरागेर वचून आयलां म्हुण ?

पांडू : नकळे हांव.

जना : हांव कितें रस्ताद पडलां व्हय तर चीफ-मिनिस्टरागेर वचपाक ? हांव कोणागेरूय वचपी मनीस न्हय.

पांडू : समजलें.

जना : कितें समजलें ? हांव चीफ-मिनिस्टरागेरसून येवंक ना, मिस्टर-मानिकोमींतल्यान आयलां.

पांडू : (अजापान) किते म्हळें ?

जना : तेंच सांगतां न्हय. हांव मानिकोमींतल्यान आयलां....मेन्टल हॉस्पिटलांतल्यान.

पांडू : अशें ? (जनाक सकल वयर नियाळटा)

जना : पूण न सरळ येवंक ना. थंयच्यान भायर सरून मळचांत देंवलों. थंयच्यान भाटल्यांत. थंयच्यान सांतिनेझ. सांतिनेझच्यान करंजळ्या. थंयच्यान काम्पाला वयल्यान हांगा आयलां. चलत. समजलें ? केन्ना केन्ना मनशाक लागिच्या मुक्कामार पावपाक लांबचे वाटेन वचचें पडटा. . . समजलें ?

पांडू : समजलें. (तोंडातलें सिगार काडटा. त्याच सिगारान दुसरें पेटयता)

जना : तुका केन्सर जावचो ना ?

पांडू : सिगारान ? (खांके वावुडटा) कोणाक जाल्लो पळोवंक ना.

जना : केन्सर न्हय जाल्यार, हार्ट फेल जावन मरतलो.

पांडू : कोण सांगता ?

जना : तुजे वोंठ आनी बोटां पळोवन हांव सांगतां. तूं हार्टफेल जावन मरतलो वर्स दोन वरसांभितर. फट न्हय. हार्टफेल जावन मरपी चड-शे तुजे सारके चेन-स्मोकर आसतात. सिगार सोड तें.

पांडू : तूं दोतोर बी काय कितें ?

जना : हें सांगपाक दोतोर कित्याक जाय ?

पांडू : बरें आसा. . .तुका लागना म्हजें (जनाची कटकट वचची म्हुण परतें पुस्तक उकतें करता.)

जना : म्हाका वच म्हणटा तूं ?

पांडू : हांवें खंय म्हळां ?

जना : न्हय. . .हांव उलयता आसतना मदींच पुस्तक उकतें करून वाचूंक लागलो म्हुण विचारतां. हांव वचूं ?

पांडू : हांव नकळ.

जना : वचूं काय रावूं ?

पांडू : हांव कितें सांगूं ? तुका जाय तें कर.

जना : तूंच सांग. तुजेकडेन उलयल्यार, तुजी कितेंय आडखळ आसा ?

पांडू : (कितें जाप दिवची, समजना जावन) म्हजी कित्याक आडखळ आसतली ?

जना : म्हणटकूच हांवें उलयल्यार जाता मू ?

पांडू : (भिडेन) जाता.

जना : तुजें तोंड पळेल्यार तशें दिसना.

पांडू : तशें म्हळ्यार कशें ?

जना : हांवें उलयल्यार जाता अशें.

पांडू : (गोंदळटा) हांव नकळ...कितें उलोवपाचें आशिल्लें ?

जना : आशिल्लें....

पांडू : मागीर, उलय.

जना : तुका उबगण येवची ना मू ?

पांडू : (हांसता.) ना...ना...उलय तूं.

जना : हांव मानिकोमींतल्यान आयलां.

पांडू : सांगपाची गरज ना.

जना : तुका खबर आशिल्ली ?

पांडू : ना.

जना : मागीर, तुका कशें कळ्ळें ?

पांडू : कळटा तें...अवतार पळेल्यार (हांसता.)

नाज : फाल्यां पेपराचेर वाचतलो तूं. ना जाल्यार रेडियोर आयकतलो आसा मू रेडियो तुगेर ?

पांडू : (बोटां दाखोवन) दोन.

जना : दोन ?

पांडू : एक भुरग्यांचो.

जना : म्हणटकूच काझारी तर तूं (खु खु करून हांसता.)

पांडू : हांसता कित्याक ?

जना : काझारी म्हुण...सगळ्यांनी काझारी आसूंक जाय असो कांय नेम ना, म्हय ?

पांडू : नेम कित्याक आसतलो ?

जना : सांगं येता ?...असो नेम आसूंक जायना. सगळ्यांक बायल

आसुंकूय जाय अशें ना. (मदींच थांबून) तुजी बायल बरी दिसता ?

पांडू : तुका कित्याक ?

जना : हरशीं विचारतां. हांव कांय करिना तिका. पुणून. .सुंदर बायले-कडेन केन्ना लग्न जावचें न्हय. . .सुंदर बायलो दुसऱ्यांच्यो आसच्यो. च. . . .च. . .च. . .सुंदर बायल मेळ्ळी तुका.

पांडू : (बुचकळच्यांत पडून) ना.

जना : तशें जाल्यार, बरें जालें. शेजारीय पातकांतल्यान वाटावलो. तूंय सुखी उल्लो.

पांडू : तुका म्हज्या प्रायव्हेट लाइफाचें कांय लागना आं.

जना : हांवें खंय लागता म्हळां ? (वोगी रावता) तुका वायट दिसता जाल्यार विचारिना.

पांडू : तुजें कसलें काम आशिल्लें म्हजेकडेन ?

जना : काम ? . . . .सांगतां. पुणून एक सांग. भुरगीं कितलीं तुका ?

पांडू : तुका कित्याक ?

जना : हरशी. (पांडू दोन बोटां दाखयता.) दोन ? दोगूय चले ? (पांडू मान हालोवन न्हय म्हणटा) एक चलो, एक चली ? (पांडू परतीय मान हालयता) दोगी चलयो ? (खी खी करून हांसता) तुमकां एक तरी चलो आसूंक जाय आशिल्लो. न्हय ?

पांडू : हय.

जना : हांव तेंच म्हणटां. खरें म्हळ्यार तुमकां दोगूय चले जाल्ले जाय आशिल्ले. (हांसता) पुणून देवाची करणी पळे. दोगीय चलयो दिल्यो. देव तुका जाय तें केन्ना दिना. . .केन्ना दिना. (हांसता.) आतां, भुरगी बंद. . . .हय मू ? काय, चलो जाय सर. . .

पांडू : तुका कित्याक जायण्यो ह्यो ?

जना : हरशीं. कुरयोझदाद. . .आनी कित्याक ? कितें, ओपेरासांव केलें ? (पांडू मान सकल घालता जाप दिना) सॅर्त, ओपेरासांव केलें. . .तुवें काय बायलेन ?

पांडू : तुजें चड जालें आतां.

जना : सांगचो ना जाल्यार नाका सांगूं. पुणून तुज्या आवाजावयल्यान हांव सांगतां. ओपेरासांव तुवेंच करून घेतलां. (हांसता) बरें केलें. लोक पिशे. बायलेचें करतात. आनी मागीर (हांसता) तांकां जग मेकळें. (हांसता)

पांडू : (सोंसूं नज जावन) तुका पर्थून एक फावट सांगतां. म्हज्या प्रायव्हेट लाइफाचें तुका कांय लागना. समजलें ?

जना : तुका राग आयलो? बरें बाबा, हांव कांय उलयना, (भुजां वावडून) म्हाका दुसऱ्याचें कितें लागता ? (वोगी रावता) आनीक कितें खबर ?

पांडू : खबरी करपाक हांवें तुका आपयल्लो ?

जना : ना, हांवूंच आयिल्लों. हरशीं, हांवूंय खंय कोणाकडेन खबरी करूंक वतां ? हांव चडसो कोणाकडेन उलयच ना. [मातसो वेळ वोगी रावता] पुणून केन्ना केन्ना घुसमटिल्लेवरी जाता आनी कोणाकडेनूय उलोवचें-शें दिसता.

पांडू : त्या खातीर आज तुका दुसरो कोणूच मेळ्ळो ना ?

जना : ना. . .पुणून तुका पळेतकूच दिसलें, हाच्या नक्षत्राक आनी म्हाका पडटलें. हाका बायल आसतली. धुवो आसतल्यो. . .धुवो बऱ्यो दिसतात ? (पांडू जाप दिना) कांय नज. भुरग्यो आसतल्यो त्यो अजून. एक दीस वाडटल्यो आनी तुजी सगळी जोड घेवन वतल्यो. (मातसो वेळ वोगी) सुणो-बिणो पोसूंक ना ? (पांडू अजापान पळेता आनी मुमुरख्यांनीं हांसून मानेन ना म्हणटा) अब्बा ! सुणो पोसूंक ना ? बुकलो ? [पांडू मानेन ना म्हणटा] बुकलोय पोसूंक ना ? अजाप दिसता. बायल आसा, भुरगीं आसात. आनी सुणो ना, बुकलोय ना ? तूं कांय तसो दिसना.

पांडू : तसो म्हळ्यार कसो ?

जना : जनावर घाणो.

पांडू : (मुमुरख्यांनीं हांसून) चानयो पोसल्यात. (बोटांनीं दोन म्हुण सांगता.)

जना : दोगी धुवांक दोन चानयो. आनी तुका ? बायल. आनी बायलेक तूं आनी धुवो (हांसता) चानयो दुयेसां हाडिनात ?

पांडू : चानयो दुयेसां हाडटात ? हांव नकळ आशिल्लों.

जना : ॲलर्जी जाता, ॲलर्जी. चानयांची, शेवण्यांची, सुण्यांची, बुकल्यांची.

पांडू : दोतोरकी बी जाणां काय कितें तूं ? (हांसता.)

जना : हांसता कित्याक ? हांसू नाका. विचारतां त्या प्रस्नाची जाप दी. कितें करता तूं ?

पांडू : आनीक कितें ? नोकरी.

जना : स्मगलिंग, ब्लॅक, लिडरकी....कांय ना ? (पांडू मानेन ना म्हणटा.) करूंक येना. येरांगबाळांचें काम नोहे. मागीर, कितें करतलो ? नोकरी ! (हांसता.) खंय करता ?

पांडू : बँकेंत.

जना : बरे मेळटात ?

पांडू : (जाप दिवपाक फाटीफुडें सरता) मेळटात सुमाराचे.

जना : पावतात ?

पांडू : कशे पावतले, आयचे म्हारगायेंत ?

जना : तें सांगूं नाका. पयसो केन्नाच पावना. तुकाच न्हय. ते (हातांनी हावभाव करून) खोऱ्यांनीं ओडटात, तांकांय पावना...तूं खंय रावता ? (पांडू हांसता) खंय रावता ? हांसूं नाका, सांग. खंय रावता ? हांव येना रे तुगेर.

पांडू : सांतिनेझ.

जना : खंय सो ?

पांडू : मानिकोमींत वचचे पयलीं पुलिसेंत बी आशिल्लो काय कितें ? प्रस्नार प्रस्न, प्रस्नार प्रस्न ! हें पळे, तुजी आनी म्हजी वळख ना देख. कोणेंय कसलेय प्रस्न केल्ले म्हाका मानना.

जना : विचारतलों. कितें करतलो तूं ?

पांडू : (अजापांत पडटा.) फटिच्यो जापो दितलों.

जना : (पोटभर हांसता) हें मात तुजें म्हाका मानलें. 'जाप दिवचों

ना 'अशें म्हणचे परस् ' फटिच्यो जापो दितलों ' अशें म्हणप. . . प्रस्न करतलो मेलो. आपशींच बंद पडलो. . .बरो हुशार दिसता तूं. (थोडो वेळ वोगी रावता.) तूं फटिच्यो जापो दितलो जाल्यार हांव प्रस्न कित्याक करतलों ? म्हाका कितें लागता ? (हो वेळ मेरेन जना उबो आसता. आतां पासयो मारपाक लागता. मर्दींच परतता आनी परतो पांडू म्हऱ्यांत उबो रावता.) आज हांव पोटभर उलयतलों म्हूण आयिल्लों (बांकावयलें पांडूचें पुस्तक पळोवन) हें तें कितें वाचता ? (पांडू पुस्तक दिता) अच्छा ! मेमोआर्स ऑफ काझानोव्हा. . . . कव्हर घालां. (पुस्तक बांकार उडयता) आमी असलीं पुस्तकांच वाचपाचीं.

पांडू : तुवें वाचलां हें ?

जना : पंदरा-वीस वरसां पयलीं. ऐन जुवानपणांत. आमकां जमपा ना तें. (परत्यो पासयो मारपाक लागता.) आरेच्या ! आमी आमची एकामेकांक वळख करून दिवंक ना ! तुजें नांव कितें ?

पांडू : पांडू. . .पांडू गांवकार. तुजें ?

जना : म्हजें ? हांव नकळं. धर पांडू गांवकारूच . वा जना मळकर्णेकार ना जाल्यार जॉनी डिकोस्टा वा अब्दुल इस्माइल. . .कितेंय. नांवांत कितें आसा ? सगळे सारके. आमी सगळ्यांसारके. सगळे आमच्या सारके. Anyway, glad to meet you, Pandu (हात दिता).

पांडू : (हात दिवन). Equally glad to meet you.

जना : कशेंय जावं, एकामेकांची वळख जाल्ली बरी. ना जाल्यार, उलोवप जमना. पयलीं धरून हांव असों. वळख-देख आसले बगर म्हाका उतरूच फुटना. . . .न्हय, तशें न्हय. वळख देख आसली म्हूण उपकारना. कोणाकडेनूय उलयतलो जाल्यार म्हाका पयलीं दिसूंक जाय, हाची आनी म्हजी शीर एक म्हूण. . . .वेव्ह लँग्थ काय कितें म्हणटात ती जुळूंक जाय. तुजे कडेन उलयल्यार जाता न्हय ?

पांडू : (सहानुभूतीन) म्हाका नाका जाल्ले प्रस्न विचारचो ना जाल्यार, जाय तितलें उलय.

जना : हाचो अर्थ, तूं म्हाका म्हजीच खबर सांग म्हणटा. . . (खुशाल-भरीत जावन) सांगतां. (आपले भितरूच घुसमटिल्ले ब्रारी) म्हजो एकलो वळखिचो आशिल्लो. तो एकलेचेर मोग करी. पुणून ती हाचेकडेन लग्न जावपा वांटचाची हाच्या भावाकडेन जाली. तेन्नापसून तो ' ह्या संवसारांत सगळें कूय ' (बोटान कूय करता) म्हुण सांगीत फिरतालो. करंजळचां हांव रावतालों थंय. . . .शेजरा रे. . . .एक मराठी जोडपें रावतालें. तरणें. बरें सुखी दिसतालें. एक दीस बायल घोवाक ' कूय ' करून (बोटान कूय करता) एका नटा वांगडा वेगळ्या बिराडांत रावपाक लागली. जॉनीची खबर जाणां ? जॉनी रे ! वळखना ? अब्बा ! व्हडलो स्मगलर मरे. लाखांनीं रुपयांचो वेव्हार ताचो दीसपट्टो. एक दीस स्मगलिगांतलो ताचोच एकलो सांगाती पुलिसेक ताचें नांव सांगून ताचें भांगर आनी बायल घेवन दुबाय पळून गेलो. . . .संवसारांत सगळे कूय, समजलें ? आतां नयनाची खबर सांगतां. . . .

पांडू : कोण नयन हें ?

जना : अब्बा, नयनाक तूं वळखना ? खंयचो रे तूं ? गोंयचो मरे ? अख्ख्या गोयांत नयनाक वळखना असो एकलोय मनीस मेळचो ना. . . .

पांडू : म्हजे बायलेचें नांव नयन.

जना : अशें ? राव रे. . .तूं फोरेन रिटर्न्ड व्हय तर ? (पांडू मानेन ना म्हणटा) मागीर हें नयन वेगळें. आमच्या वांगडा शिकतालें तें पिपलसांत. दिनू, वामन, रंगो, दत्ता आनी. . . .आनी हांवूय अबरगत ताचेर भाळळेले. निमाणें सगळचांक कूय करून तें एका फोरेन-रिटर्न वांगडा गेलें. (खी खी करून हांसता.) आनी मागीर, जाणां ? कांय वरसां उपरांत ताकाय सोडून तें दुसऱ्या एकल्या वांगडा रावपाक लागलें. (हांसता). ह्या

संवसारांत सगळें कूय...समजलें? राव रे...तुजें नयन पळोवचें पडलें. तेंच न्हय मू तें?

पांडू : न्हय न्हय. ताचीं असलीं लफडीं नात.

जना : तें सांगूं नाका तूं...लफडीं नाशिल्ली बायलूच ना. देवान बायल निर्माण केली ती लफड्यांच खातीर. काळ रे तो!

पांडू : कोण?

जना : देव...भुरगेपणांत आमचो सांबाळ करपा खातीर कोणाची तरी गरज आसता. भुरग्या वांगडा जी वरांची वरां ....वरांची वरां हांसता, खेळटा, नाचता तिचे तकलेचो चेंबू केदो-सो आसतलो? अदमास करून पळे...बायल पिरायेन कितलीय जाणटी जावं, तकलेन ती सदांच सोळा वरसांची आसता...आतां, सोळा वरसांचें भुरगें लफडीं करचें ना, जाल्यार कितें करतलें?

पांडू : तूं सामको सीनिक दिसता, बायलांचे बाबतींत.

जना : म्हण तूं तुका जाय तें. पुणून वस्तुताय ती ही अशी. आतां पळे, तुवें वोगीच म्हजी गाडी दुसऱ्या रुळार व्हेली...आतां शंटींग करचें पडलें थोडें-शें....खंय पाविल्लों? हय....हांवें तुका येदोळ सांगिल्लें : लागिच्या मुक्कामार पावपाक मनशाक केन्ना केन्ना लांबचे वाटेन चलचें पडटा म्हुण...हांव करंजळच्यां रावतालों. एका ल्हानश्या क्वार्तांत. येदें व्हडलें घर. तातूंत एक ल्हान-सो क्वार्त म्हजो. बाकी पुराय घरांत घराची मालकीण रावी. ती आनी तिगेलो एक आल्शेशियन. मुखार एका घरांत दोन बिराडां. एकाल्यागेर भुरगींच नात. दुसऱ्यागेर कितलीं आशिल्लीं कोण जाणा! हांवें केन्ना मेजलीं नात. भुरगीं नाशिल्लो घोव रातचो घरा येतालो तेन्ना बायल ताका बडयताली. आनी तो 'घे रांडे...खा रांडे' करून वयल्यान बोबो मारतालो. लोकांक दिसचें, होच तिका लडो घालता. तो भुरग्यां-बाळकार बावडो वोगी...बायल? कंकास! वचत ताचे कडेन तिची किजिलां. कडेक, दुसरें एक घर. तातूंत दोन बिराडां. एका बिराडां-तली बायल दिसूयभर मोटच्या-मोटच्यान रडटाली. तिचो कोणें

कितें पोटलो खाल्लो, कोण जाणा ! दुसऱ्या बिराडांत कोण एकलो रावतालो. धुणून तो केन्ना म्हाका दिश्टी पडलो ना. केन्ना येतालो, केन्ना वतालो, देव जाणा. आमची घर-मालकीण म्हणी, तो सद्दां नवी नवी चली घेवन येता म्हुण . . .असले सुवातेर हांव रावीं.

पांडू : च. च. च . . .

जना : च. च. च. कितें ? तुजो शेजार कितें, हाच्याकूय बरो असो तुजो समज ? शे. शे. तूं बारकायेन पळेना म्हूण . . .मनीस सगळे सारके तशे शेजारूय सगळे सारके. सगळे कडेन तुका होच शेजार मेळटलो. . . .तुजे भोंवतणच्या सगळ्या ॲक्टीव्हिटीच्या मुळांत दोनूच प्रेरणा पळोवंक मेळटल्यो. पयसो आनी बायल. –मार्क्स आनी फ्रॉयड. ह्या दोगां ज्युदेवांनीं जे प्रस्न निर्माण केल्यात तेच सगळ्यांचे प्रस्न. . .पर्थून पळे, तुवें म्हजी गाडी दुसऱ्या रुळार व्हेली. आतां पर्थून शंटींग करचें पडलें ना ? . . .हय. कितें जालें. हांव करंजळच्यां त्या येद्या-श्या क्वातींत रावीं. त्या येद्या-श्या क्वातींत सामान कितलें आसतलें ? एक कानापो, एक मेज, एक कदेल. थोडीं पुस्तकां, एक स्टो. दोन तोप, दोन चित्र-पिरयो, लुंगी, तुवालो, शाबू . . . .असलेंच सगळें. आनी . . .कांय चित्रां. पोजडीं. पोजडीं चित्रां कित्याक काय म्हुण तुवें विचाल्लें ना.

पांडू : It's no business of mine.

जना : कशें तर ? तुवें केन्ना सांबाळ्ळीं नात ?

पांडू : भुरगेपणांत.

जना : जाणटो जातकूच तुका तांची गरज भासली ना. मातशें येवजून पळे. तुमी येवजुपाचें सोडून दिलां . . .म्हुण तुमी सुखी.

पांडू : तुजी गाडी परती दुसऱ्या रुळार गेल्या. परतें शंटींग कर.

जना : हांव जाणां आशिल्लों तूं विशय बदलतलो म्हुण. हेरां सारको तूं. जसो आसा तसो लोकांमुखार रावपाक भियेता . . . .हे ते (प्रेक्षकांकडेन बोट) अशे सभ्य-शे दाखयतात म्हुण ? सगळ्यांनी तोंडार रुपडीं घाल्यांत. तीं पींद आनी पळे. . .तांचीं रुपां तुका दिश्टी पडटलीं . . .सगळे तुजे सारके. आनी तूं सगळ्यां सारको.

(पांडू ताका सिगार दिता) म्हाका नाका. धा जल्मांची ओडून सोंपयली. .सोड तें. ना जाल्यार हार्ट फेलीन तूं मरतलो. (पांडू लक्ष दिना. आपूण सिगार पेटयता) सोड. . .जगून तरी कितें करतलो ? ओड तूं.

पांडू : कितलीं वरां जालीं ?

जना : बाजेलो काय कितें ? वरां शीं विचाल्लीं ?

पांडू : धरा वचूं नाका ?

जना : हांवें नाका म्हळां ? मातशें आयक आनी वच. (जना गंभीर जाता. इतल्यांत मोटारिच्या ब्रेकाचो आवाज आयकूंक येता. धांवती मोटार अवचित् थांबल्या. . .पांडू आंग काडटा आनी 'आः ॲक्सिडेंट दिसता ' अशीं उतरां ताच्या तोंडांतल्यान भायर सरतात. जना ताका उठिल्लो पळोवन दामून धरता) जावं, ॲक्सिडेंट जाल्यार, अशे ॲक्सिडेंट जिवितांत जायते जातात.

पांडू : कोण मोटारी पोंदा पडलो जातलो. . .

जना : आनी मेलो जातलो. . .सुटलो.

पांडू : (उठून पळेता) ना. . .मेलो ना. वाटावलो.

जना : (तसोच ताका दामून) वाटावलो ? . . .काकूळट बावडयाची. आतां आयक, म्हजी कथा आतां सुरू जाता....हय....हांव एक दीस म्हज्याच जिविताक उबगलों. आनी कितेंय तरी Thrilling अणभवतलों म्हुण बांगला देशांत गेलों. पयलीं सामको कलकत्त्याक आनी थंयच्यान ढाक्याक. लिपचोरयांनी. बांगला देश तेन्ना स्वतंत्र जावंक वावुरतालो. एकलो न्हय, एका पत्रकारा वांगडा गेलों. . . किरकोळ पत्रकार न्हय. . .कसलो म्हुण सांगूं ? रुपान म्हज्याच सारको. पुणून ताचे दोळे मोटे ओडलायणे. ताका पळेला तेन्नाच म्हाका दिशिल्लें–असल्या दोळयांच्या मनशाक सामान्यांभायले अणभव आयिल्ले आसूंक जाय. जालें कितें, ढाक्याक मात् आमी पावल्यात, पुलिसांनी आमचेर हात घालो. धरून आमकां बंद-खणींत घाले. दोगांकूय वेगळया वेगळया कुडिनीं. आनी. . .हाचें म्हाका वायट दिसचे बदला बरें दिसलें. म्हाका म्हजे

भितल्ले जिणेंतूच भोवंक मेळळें. एक दीस–आठेक दिसां उपरांत. . . .धुकें पडिल्लें. म्हाका कितेंशें चुकिल्ले–चुकिल्ले वरी जावपाक लागलें. तुका संवसार सारको चलना अशें केन्ना जावंक ना ? तशें–शें कितें म्हाका त्या दिसा जालें. अवचित् एक पुलिसेचो अधिकारी आयलो आनी म्हाका म्हजे कुडींतलो घेवन गेलो. खंय ? . . .दुसरे एके बंदखणींत. . . धोली सारके. . .थंय तो अप्रुपांच्या दोळयांचो पत्रकार आशिल्लो. आमी दोगूच जाण ते धोलींत. हांवें ताका विचाल्लें–' आतां आमचें कितें जातलें ? ' ' कांय सांगू नज ' ताणें जाप दिली. ' घडये आमकां मरसर पेट घालतले आनी जिते मारून उडयतले. ' मजा पळे, हे सांगता आसतना तो मात् लेगीत भियेवंक नाशिल्लो. हांव येवजूंक लागलों, हांव आतां ह्या मनशा वांगडा मरतलों– जाका आठ-धा दिसांपयलीं हांवें पळोवंक लेगीत नाशिल्लो, जाच्या वांगडा म्हजो कसलोच संबंद येवंक नाशिल्लो. .तो आनी हांव. . हांगा मरतले. केन्ना केन्ना खऱ्यो गजाली फट-श्यो दिसतात. तीन-सान जाली. आमी ते मेरेन कितेंच उलोवंक नाशिल्ले. कितें उलयतले आशिल्ले ? तीनसनां ताणें म्हाका सांगलें–' आमी आतां मरतले. चड करून आयजूच ते आमकां मारून उडयतले. आतां अशें करूंया. मरचे पयलीं आमी एकामेकांक आमच्यो सगळयो खबरी सांगून उडोवया. सगळयो म्हळयार सगळयो. केन्ना कोणाक सांगिनात त्यो...समजलें ?' हांवें म्हळें : 'समजलें' ' कांयच लिपोवप ना. कांयच म्हळयार कांयच ना. . .समजलें ?' ' कोण पयलीं सांगता ? ' हांवें विचाल्लें. ' तूं सांग. ' आमी ओली–सुकी केली. (बोटान पयसो उडयल्ल्याचो भास) म्हजेर आयलें. ताणें म्हळें : आपूण हेरांपरस वेगळो अशें मानप हाचे सारको दुसरो भ्रम ना. .तूं सगळयां सारको आनी सगळे तुजे सारके आसतात. आनी हांवें सांगपाक सुरवात केली. . . केन्नाच कोणाक सांगूंक नाशिल्ल्यो खबरी हांवें ताका सांगल्यो. आवय-बापूय कोण, खंयचो कात बी भायले जिणे विशिचें एकूय

उतर सांगलें ना. सांगलें सगळें भितल्लें. एकामेकांकडेन मेळ नाशिल्लीं हांवें म्हजीं वेगळीं वेगळीं रूपां ताका दाखयलीं. हांतलें एक रूप कशें अकस्मात वयर सरता आनी म्हज्या जिविताचेर कसो शेक चलोवपाक लागता आनी वयर सल्लया उपरांत म्हाका कशें आपलो बंदो करता आनी तें विद्रुपूच कशें खरें जाता तें हांवें ताका समजावन सांगलें. बायलां विशिचीं म्हजीं मनोराज्यां सांगलीं आनी ह्या मनोराज्यांचीं फकाणां जाल्लेवरी वेगळ्या वेगळ्या बायलांकडेन कसो कसो संबंद आयलो तेंय सांगलें. म्हज्या मनांतले पोकळसाणेचो एकमुळो संवसार आनी त्या संवसारांतलें म्हजें सांसपप, भोंवप, धांवप, उडप ताच्या मुखार उकतें केंलें. नंदनवनाचेर नदर मारून आयिल्लें म्हजें उमेदी मन, संवसार म्हळ्यार दुख्खांची खण म्हणपाची खातरी पटिल्लें म्हजें निर्शेल्लें मन, येशान बेबदें जावपी म्हजें हावेशी मन, कल्पनांची रास घेवन बशिल्लें म्हजें अबरगती मन, भुतावरी भोंवपी म्हजें खर्शेल्लें मन, लोकांचे इत्सेप्रमाण रुपडीं घालपी म्हजें नाटकी मन, संवसाराकडेन अजापान पळोवपी म्हजें भुरगें मन—असलीं म्हजीं कितलींशींच मनां, कितलीं-शींच रूपां कशीं मदींमदीं वयर उफेवन येतात तें ताका दाखयलें. म्हज्या मनांतले कोठयेंतलें सगळें हांवें उस्तून काडलें—म्हजे हावेस, म्हजी अजापां, म्हजे मत्सर, दुख्खां; अंतस्करणाचेर जड शिळा कश्यो जावन बशिल्ल्यो म्हज्यो चुको, मदीं मदीं उचंबळून येवपी विद्रोह, दागपी दुस्वास, लासपी मस्ती, आकूळ-पिकूळ करपी सुंदरकाय, आशिर्वाद शिवरावपी शांती, भितल्लीं झगडीं—सगळें सगळें ताका उकतें करून सांगलें. हांव उलयतालों तेन्ना मदीं मदीं थांबतालों आनी येदेंय व्हडलें हें म्हा-भारत सांगता आसतना म्हज्या मुखार तो बसला म्हणपाचेंय विसरतालों. वर भर उलयलां जातलों हांव. सगळें सांगून उडयल्या उपरांत हांव भितल्ल्यान सामको पोकळ जालों. ताणें सगळें आयकून घेतलें. जितलेंय सांगलें ताचें ताका मात लेगीत अजाप जालें ना. ताणें फक्कत इतलेंच म्हळें : 'अेंऽ!

तूं सगळ्यां सारको आनी सगळे तुजे सारके'. आतां तो केन्ना काय आपल्यो खबरी सांगता अशें म्हाका जाल्लें. तो सुरू करूंक वतालो. इतल्यांत–परतो पुलिसेचो अधिकारी आयलो आनी म्हाका उबारून घेवन गेलो....आनी बद्द बॉर्डरीचेर ह्याडून सोडलो. त्या मनशाचें कितें जालें, म्हाका केन्ना समजलें ना. ताची म्हजी परती भेटूच जावंक पावली ना...कांय दिसांनीं हांव गोंयां आयलों. (जना खीणभर वोगी रावता) गोंयांत पर्थून म्हाका तोंडार रुपडीं घालून भोंवचें पडलें. एक दीस...मध्यान राती म्हाका जाग आयली. न्हिदूच पडना जाली. कित्याय कितें येवजपाक लागलें. अकस्मात् दिसलें–संवसारांत एक मनीस असो आसा कि जो म्हजें सगळें जाणां. हांव मात ताचें कांयच नकळं... पत्रकार तो. ताणें म्हजी खबर लोकांक बी सांगली ना मूं ?... हांवें ताका कांयच लिपोवंक नाशिल्लें. आनी ताचीं तीं उतरां भोवन शोवन तकलेंत घोळूंक लागलीं. 'तूं सगळ्यां सारको... सगळे तुजे सारके...' त्या दिसाच्यान म्हाका न्हीद ना. हांव भोंवतालों–करतालों, पुणून कितें म्हुण कोण जाणां, म्हाका नज-शें जातालें. (पर्थून खीणभर वोगी) एक दीस–याद काडल्यार लेगीत थरथरो येता–एक विस्मीत घडलें. हांव बसीन आगशी वतालों. म्हज्या म्हऱ्यांत एकलो बशिल्लो. म्हज्यांत आनी ताच्यांत कसलेंच सारकेपण नाशिल्लें. हांव ताका पळेतालों. अकस्मात ताचें रूप बदल्लें...जिस्त हांव. हारशांतूच हांव म्हाका पळेतां-शें दिसलें. बस आगशी पावली. हांव तसोच धक्यार उबो रावलों. कितल्यो फेरी बोटी आयल्यो आनी गेल्यो...म्हाका नज जालें. करंजळ्यां परतलों. घरमालकिणीचो आल्शेशियन म्हाका पळोवन शेंपडी हालोवंक लागलो. तोय–ताचेंय रूप म्हजेवरी जालें त्या दिसाच्यान जाका जाका म्हुण हांवें पळोवचो ताचें रूप म्हजे-वरी जावचें...मागीर कोण जाणां कसो म्हुण. हांव आल्तीन्यार पावलों...(जना वोगी रावता. पांडू अजापान ताच्या तोंडा-कडेन पळेता.) म्हाका बसपाक मातसो जागो दी. (हो वेळ मेरेन

जना उबोच राविल्लो आसता. पयलेच खेपे तो बसता.)

पांडू : सॉरी. . .हांवें तुका पयलींच बसपाक जागो दिवपाचो. (जागो करून दिता. पर्थून दोगूय वोगी.)

जना : सोंपली म्हजी कथा. सांग, तुजें हाचेर कितें म्हणणें आसा तें. (पांडू जाप दिना) कांयच तथ्य ना हे कथेंत ? Oh come on now, tell me what you think.

पांडू : (बुचकळयांत पडून) well, I don't understand. तुंवें कित्याक सांगली म्हाका ही खबर ?

जना : कित्याक म्हळयार ?

पांडू : तुंवें सांगलें तांतलें म्हाका कितेंच समजूंक ना.

जना : अब्बा ! . . .हांवें सोप्या उतरांनीं सगळें सांगलां.

पांडू : म्हाका कितेंच समजूंक ना.

जना : Right ! . . .तुका समजुपाचें ना. तुंवें झू पळेला. . .झू ? तातूंत सगळे तरेचीं सुकणीं-सावदां आसतात. पुणून सगळीं एकामेकां-पसून पांजऱ्यांनीं वेगळायल्लीं आसतात. सगळीं एकेकडेन दिसतात. पुणून सगळीं वेगळीं वेगळीं. . .तुजो–म्हजो संवसार असो. You will never understand me पुणून सोड.हांवें तुका खंयच दुखोवंक ना मू ? एक सांगपाचें उल्लें. . .मानिकोमींत पावलों तेन्ना सुरवाती-सुरवातीक म्हाका दिसलें, मरून हांव सर्गार बी पावंक ना मू ? . . .सर्गूच बद्द हो. लोक कितलो अजापांचो ! जण एकलो आपल्याच येवजण्यां भितर गुल्ल. . .म्हाका कितेंच लागनाशिल्लें. दुडवांक हात लावपाची गरज ना, कोणाक मेळपाची गरज ना. . .कोणाचीं पत्रां नात. . .कांय म्हळयार कांयच ना... बद्द सर्गा सारकें. हांव म्हजें नांव लेगीत विसल्लों. थंय एक मनीस हांवें पळेलो. जनेला सरीं उबो रावन भायलो देखाव दोळयांनीं ताणें पियेवचो. हांवें ताका एक दीस विचाल्लें–' वरां कितलीं जालीं ? ' ताणे आपले घडयाळी कडेन पळेलें. . .हाताक घडयाळ आशिल्ली, पुणून घडयाळीक कांटे नाशिल्ले–आनी म्हाका जाप दिली : अनंत काळ जावन पंदरा मिणटां. . .'

समजलें ?...असलें वातावरण फकत सर्गांत आसता.

पांडू : (अजापान आयकता) आयचो सांजवेळ हे भाशेन पासार जातलो अशें हांवें येवजूंक नाशिल्लें.

जना : You mean, I am not the gentleman you were expecting.

पांडू : I wasn't expecting anybody.

जना : तुका काझ्झानोव्हाचो सांगात आशिल्लो (पुस्तका कडेन बोट दाखयता) Anyway हांव पावलों आनी आतां हांगासल्लों हालपाचो ना.

पांडू : (घडयाळी कडेन पळोवन) म्हाका आतां वचूंक जाय.

जना : बस मातसो. (अवचित पांडूक खातखुतल्यो करपाक लागता.)

पांडू : हा...हा...हा...ही...ही...ही...नाका...नाका ...पुरो...(जना खातकुतल्यो करीत रावता) ही...ही ...ही...ही...पुरो, पुरो आतां...हु...हु...हु...

जना : पांडू ?

पांडू : ही...ही...ही...कितें ?...ही...ही...ही...

जना : फुडली खबर सांगू मरे ? (पांडू ही...ही...ही...करीत रावता.) आयक सांगता. मातसो मुखार सर.

पांडू : हु...हु...हु...सॉरी. तुका बसपाक सारकें मेळूंक ना ? (पांडू कुशीक सरता. जानू ताका चिमटो काडटा.) आवयस्... तुका कितें जालां रे !

जना : मातसो कडेक सर. (परतो चिमटो काडटा.)

पांडू : (मातसो कडेक सरून) आवय गे म्हजे !

जना : आनीक मातसो. (आनीक एक चिमटो.)

पांडू : आवय गे ! (सामको बांकाच्या तोंकाक तेंकता.) आनी खंय मुखार वच म्हणटा ?

जना : मातसो. (आनीक एक चिमटो.)

पांडू : आवय ! चिमटे काडूं नाका...आवय गे !

जना : कशे...अशे ? (चिमटो काडटा.)

पांडू : पुरो. . .पुरो. . .तुका जालां तरी कितें ?
जना : कांय ना. . .म्हाका बांक जाय. तूं ऊठ हांगासल्लो.
पांडू : हांव ऊठ ? . . .हांव कित्याक उठ्ठलों ?
जना : ऊठ आनी त्या बांकार वचून बस. (दुसऱ्या बांकाक बोट दाखयता.)
पांडू : तूं वचून बस थंय. हांव कित्याक वतलों ?
जना : हो बांक म्हाका जाय. तूं उठ्ठा काय ना ?
पांडू : ना उठचों.
जना : तुका उठचेंच पडटलें. . . .म्हाका जाय हो बांक.
पांडू : अब्बा ! . . .बांक म्हजो.
जना : हांवें तुका सांगलां. हो बांक म्हाका जाय. बोक-फिशाद थंय वचून बस. (दुसरो बांक दाखयता.)
पांडू : हांव थंय बस ? तूं बस. हो बांक म्हजो. हांव पयलीं बशिल्लों. . .तूं कोण सांगतलो म्हाका ऊठ म्हूण ?
जना : बांक तुज्या बापायचो ?
पांडू : बापूय वयर काडूं नाका.
जना : काडटलों. . .उठ्ठा काय ना ?
पांडू : ना उठचों. कितें करतलो ?
जना : पळेतलो ?
पांडू : आयचो पुराय सांजवेळ तुका हांवें सोंसलो. ताचें पानवळ हें ? तुका उलोवपाचें आशिल्लें, मन ल्हव करपाचें आशिल्लें. . . हांवें सगळें आयकून घेतलें. . .
जना : म्हजेर उपकार केले ? . . .ऊठ. . . (ताका धुकलता)
पांडू : (हटाक पेटून) ना उठचों.
जना : ऊठ. . .लाग चलूंक.
पांडू : तूं लाग चलूंक. हांवें तुका हांगा आपोवंक नाशिल्लो. (जनाक धुकलता) उठ्ठा काय ना ? (जना घट बसून रावता) उठ्ठा काय ना ? काय, पुलिसेक आपोवं ? पुलीस. . .पुलीस. . . .
जना : (हांसता.) ह्या वेळार हांगा पुलीस नासता. . . .
पांडू : पुलीस. . .पुलीस. . . (अवचित् थांबता. . .स्वताकडेन पळेता)

म्हाका कितें जालां, समजना.

जना : कितें जातलें ! येदो व्हडलो दादलो तूं...एके बायलेचो घोव. दोन धुवांचो बापूय...भियेला पळे, कसो !...पुलिसेक आपयता ! तुका कोण खांवक आयला रे ?

पांडू : सकाळीं उठून कोणाचें तोंड पळेल्लें काय देवा ! काय ब्रो, सुशेगाद बसतलों म्हुण आयिल्लों...तूं मेर्द...फील्यु द पूत... वास्सीमॉर...

जना : (हांसता) काय तर ! अेके बायलेचो घोव ! दोन चलयां बापूय. थू तुजे अकलेक.

पांडू : वास्सीमॉर....

जना : कित्याक वासीमॉर...बांक कितें तुका येरांसांत मेळ्ळा ? बायल आसा...भुरगीं आसात. नोकरी आसा...बांकूय जाय ? कसले किरकोळ गजालीखातीर झगडटा रे !...

पांडू : म्हाका शापातां सांगूं नाका. ऊठ हांगासल्लो.

जना : (हांसता) You stupid...

पांडू : (थरथरता) हें पळे, बांक म्हजो.

जना : खंयच्यान हाडिल्लो ?

पांडू : जाय थंयच्यान. तुका कित्याक ? तूं ऊठ.

जना : ना उठचों. तुका बांक म्हजे कडल्यान झगडून घेवचो पडटलो. सोंपेपणान तुका तो मेळपाचो ना.

पांडू : (उठ्ठा) यो... (झगडपाच्या पवित्र्यांत)

जना : आसा कापाझदाद ? (हांसता.)

पांडू : (रागान) यो...खऱ्या बापायचो पूत जाल्यार.

जना : (उठ्ठा) बरें आसा...पांडू...झगडपाक दोगूय सारके बळिश्ट आसूंक जाय. (बोल्सांतली सुरी काडटा.)

पांडू : (गर्भगळीत जावन) तूं पर्थून विरार जाला...तूं म्हाका मारतलो...म्हजो जीव घेतलो...

जना : घे ही सुरी हातांत आनी यो. (सुरी पांडुच्या पायांकडेन उडयता.) घे ती. सारकी जोडी जातली. (पांडू पळपाचो यत्न करता. जन

ताच्या कॉलराक धरता) खंय पळटा ? घे ती सुरी हातांत. आनी खऱ्या बापायचो पूत जाल्यार, यो झगडूंक (पांडूक घट्ट धरता.)

पांडू : सोड...सोड म्हाका.

जना : (पांडूच्या तोंडार थापटां मारून) You. Bastard.... स्वताक व्हडलो समजतालो. बायलेक चलो दिवंक आयलो ना तुका...(ताका मारपाक लागता.)

पांडू : देंवचारा...(सोडोवन पायांकडली सुरी हातांत घेता आनी फाटीं सरता...सुरी मारपाक न्हय, आपणाक राखपाक मुखार धल्ल्या.) तुका निमाणो चान्स दितां...वच हांगासल्लो.

जना : ना वचचों (जना पांडुच्या आंगार धांवता...काळोख जाता 'आवय गे' हीं जनाचीं उतरां आयकूंक येतात. उजवाड जाता तेन्ना जना सकल पडिल्लो दिश्टी पडटा. ताच्या पोटाक सुरी लागल्या.)

पांडू : देवा ! हें कितें जालें...कितें जालें (भियेला.)

जना : (उठून बसपाचो यत्न करता) आवय गे !...पांडू, भियेवं नाका...जावपाचें तेंच जालां...म्हाका जाय आशिल्लें तेंच जालां...म्हाका ह्या संवसारांत रावपाचें नाशिल्लें...मानि-कोमींतल्यान भायर सरिल्लों तेन्नाच हांवें थारायल्लें, हांव ह्या संवसारांत रावचों ना...ह्या संवसारांत...ह्या घुसपा-गोंदळांत...दयामाया नाशिल्ल्या लोकांत, मनां जांचीं मेल्यांत, बुद्द जांची कळमेल्या असल्या लोकांच्या संवसारांत...भंय, दुस्वास, मत्सर हांच्या ह्या गुदावांत म्हाका रावपाचें ना... मानिकोमींत खूब बरें आशिल्लें...म्हाका थंयसून सुटका जाल्ली नाका आशिल्ली...सुंदरकायेक पुरून कुरूपतायेक पुजपी लोकांच्या जगांत,दुडवांच्या साम्राज्यांत आनी तांचे आपुण धनी म्हुण मानपी राक्षसांच्या संवसारांत म्हाका पर्थून येवपाचें नाशिल्लें. ना...पांडू...तुवें म्हजेर खूब मोटो उपकार केला...तुवेंच म्हजी खरी सुटका केल्या...Thank you Pandu...Thank you very much.(पांडू भियेवन रडपाक लागता) रडूं नाका

पांडू...म्हाका भियेवन तूं पळून वतलो असो भंय म्हाका दिशिल्लो...पांडू...खूब उपकार केले तुवें म्हजेर.

पांडू : देवा सायबा ! (रडटा.)

जना : पळ तूं आतां हांगासल्लो...कोणूय येवंचे पयलीं पळ. (पांडू रडटा.) रडूं नाका...बेगीन पळून वच. आतां परतो तूं ह्या बांका म्हऱ्यांत येवपाचो ना. बांक काडून घेतलो हांवें तुजे कडल्यान. पळ आतां... hurry up (बोल्सातलो लेंस काडटा आनी सुरयेर हाताचे छाप दिसचे न्हय म्हुण ती पुसता) पळ... आतां वेळ होगडावं नाका. सट्ट करून कोणूय येत...(पांडू पळपाक लागता.) राव...(बांकार पडिल्लें पुस्तक दाखोवन) तें विसरशीत...(पांडू पुस्तक घेवंक मुखार सरता आनी फाटीं सरता.) उबार तें...आनी आनीक रावं नाका...पांडू, देव तुजें बरें करूं...बरो करून, पांडू...

पांडू : देवा...देवा...(पुस्तक घेवन पळटा)

जना : (उपहासान आनी दुख्खाचे कळीन) देवा...देवा...(मरता.)

(पडडो पडटा.)

★ ★ ★

पिसोळें

संवगां

सुमन–एक लग्न जाल्ली तरणी बायल.

श्रीकांत–ऑफिसांतलो एक क्लार्क.

बॉस–सुमनाल्या ऑफिसाचे मुख्येल.

मिस फर्नांडीस–ऑफिसांतली सुमनाली इश्टीण.

सुरेश–सुमनालो घोव.

विजय–एका मनशाची त्या नांवाची आकृती आनी आवाज.

सुलभकाकी–सुमनाले नात्यांतली बायल.

(सोमार, सकाळची धा जाल्यांत. सुमन ऑफिसांत येता.)

श्रीकांत : (उठून उबो रावता.) गुड मॉर्निंग मिसेस कामत. एक पत्र आसा. मेजार दवल्लां.

(सुमन हांसत हांसत आपल्या मेजाकडेन वता. मेजावेलें पत्र हातांत घेता आनी कदेलार बसता. पत्तो वाचता. अक्षर वळखुपाचो यत्न करता. लाखाटो आरतून परतून पळेता. आनी मागीर पेपर नाइफ घेवन लाखाटो उकतो करता.)

श्रीकांत : खंयचे इश्टीणीलें जातलें.

सुमन : च्यॅऽ लग्न जायत पसून कोणाकडेन संबंदूच उरूंक ना चड-सो. मुम्बयचे-शें दिसता.

(सुमन पत्र वाचता. वाचत वता तशें ताचें तोंड निळें–काळें जाता. अकस्मात कदेलावयलें उठ्ठा, परतें बसता आनी ताकतिकेन घोवाक फोन करता.)

सुमन : हॅलो, सुरेश. एक वायट खबर. रूपाक पिशें लागलें. घोवाक सोडून गेलें खंय तें. खरें दिसता तुका ? हय. पत्र आयलां. आतांच मेळ्ळें हांगा ऑफिसांत. हांव वळखना कोण तो सकल विजय म्हुण सय केल्या. आयक आं :

" डीयर मिसेस कामत, तुमची म्हजी वळख ना. पुण एक वायट खबर दिवपाक हें बरोवंक बसलां. रूपा घोवाक सोडून गेलें. लग्न जायत पसून ताका आनी घोवाक पडनाशिल्लें. सदांच दुख्खी आसतालें. लग्ना उपरांत कांय दिसांनीं घोवाची कोण एकली आसा म्हणपाचें ताका कळ्ळें. तेन्नापसून ' दोगांय आपलो कांटो काडूंक सोदतात ' असो एक दुबाव ताचे तकलेंत रिगलो आनी तो दिशीं–दिशीं वाडत गेलो. मागीर तें नाका नाका जाल्लीं पिशेपणां करपाक लागलें. मदींच ताणें मोटया मोटयान रडचें. मदींच ' म्हाका वांचयात रे . . वांचयात ' म्हणचें आनी भायर धावन वचचें. ' म्हाका विख्ख घालें ' म्हुण्णूय केन्ना केन्ना किळांच्यो मारून लोकांक सांगचें. अखेरेक ताका

मेन्टल हॉस्पिटलांत घालचें पडलें. कांय म्हयने तें थंय उल्लें. थोडयाच दिसां पयलीं ताका डिस्चार्ज मेळळो. पुण ते निवळूंक नाशिल्लें. कित्याक, एका सप्तकांतूच तें आपणालें बॅग घेवन खंय तरी उठून गेलें. वतना कोणाक सांगलें ना. आतां म्हयनोभर जालो ताका घरचीं सोदतात, घोव म्हणटा : मेळना फुडें डायवोर्स घेवन ताका मेकळें करतां. ताचो बापूय आनी हेर सोयरे ताका सोदीत आसात. तुमचे थंय तें पाविल्लें आसत जाल्यार ताच्या बापायक खबर कळोवची. (हांगा सुमनाचो गळो भरून येता) रूपा मनान खुबूच नाजूक आसा. ताका आधार जाय. 'प्रोटेक्शन' जाय . . . बरें मागून-विजय.

चत्राय : वतना रूपान तुमचीं सगळीं पत्रां व्हेल्यांत."

सुरेश, कितें करूंया ? अशें कशें जालें ? (रडटा.) सांग मरे. आमचीं पत्रांय घेंवन गेलां खंय वांगडा. हय, हय. आयकतां हांव. राव आं. (मेजावेलें पेन काडटा आनी पॅड ओडून बरोवपाचे तयारेंत रावता) हय. २९ तारखेचें. आज ३१. हातान बरयलां. हांव वळखना विजयाक. कोण, कोणाक खबर ! च्येऽ असलीं फकाणां कोण करतलो ? हांव कोणाक वळखना. हय. राव आं. एकलो प्रोफेसर आसा म्हजो थंय. कितें बरोवं ? सांग. (बरयता.) एक, रूपाची खबर खरी काय फट, कळय म्हुण. दोन, विजय म्हुण कोण थंय आसा काय कितें, हाचोय सोद लाय म्हुण. तीन, तेलेग्रामान जाप धाड म्हुण . . . सुरेश, तूं कितलो हुशार रे. (आवाजांतलो हुसको ना जाता.) म्हाका यादूच ना. एप्रील फूल म्हुण फाल्यां जांव येता स्टँट. तरी आसतना बरयतां हांव म्हज्या सराक–सूऽ जालें. बरें तर. (हांसता आनी फोन दवरता.)

(ताकतिकेन पत्र बरयता आनी लाखाटयांत घालून तें श्रीकांता सुवादीन करता. दिवो तीन खेपे पालवता. तीन दिसां उपरांत. देखाव तोच. सुमन कदेलार बसलां. श्रीकांत धांवत धांवत येता.)

श्रीकांत : मिसेस कामत, तेलेग्राम.

(सुमन तेलेग्राम उकतो करता. तोंड पडटा. घोवाक फोन करता.)

सुमन : सुरेश, एप्रील फूलचो जोक न्हय हो. सराचो तेलेग्राम आयला.

आतांच मेळ्ळो. विजयाचें उतरान उतर खरें खंय. कांयच समजना. हय, हांव येतां भायर सरून घराकडेन. तूं पुलिस-स्टेशनार फोन कर. ना. तीन वरसां जालीं हांव रूपाक मेळूंक ना. निमाण आयिल्लें तें एक ग्रिटींग. ना. विजयाचेय कांय ना (फोन दवरता. बॉस येता.)

बॉस : हाउ डु यू डू, मिसेस कामत !

सुमन : (उठून उबें रावता.) फायन.

बॉस : साडी सुंदर. (सुमन हांसता.) तोंड पडलां कित्याक ? एनी बॅड न्यूझ ?

सुमन : हय. म्हजी एक इश्टीण घोवाक सोडून घरच्यान ना जाल्या.

बॉस : ओ ! टू बॅड. परती येतली अशी आस्त धरुंया.

(काळोख जाता. काळखांत चार आवाज आयकूंक येतात.)

पयलो आवाज : कितें जालां सुमन तुका ?

सुमन : रूपा घोवाक सोडून गेलां.

दुसरो आवाज : कांय नज. परतें येतलें.

तिसरो आवाज : तूं हुसक्यांत कित्याक पडलां सुमन ?

सुमन : रूपा पिशें जालें.

चवथो आवाज : तें बरें जातलें. आय यम् श्योर.

(चारूय आवाज एका कोरसांत भरसतात. सुमनाच्यो जापो मदीं मदीं उद्‌गार चिन्नाभशेन आयकूंक येतात. उजवाड जाता. परतो सोमार. देखाव तोच. सुमन पत्र उकतें करता. परतो काळोख जाता. एक रंगीत स्लायड–तातूंत एके सुंदर चलयेचो फोटो. सुमनाचो आवाज.)

सुमन : हें माला पुण्यांत मायक्रोबायोलोजी शिकता. म्हजे मावशेगेर रावता. (हांसता,) खुबूच हुशार चली. म्हजे मावशेचो चलो ताका सदांच आपले स्कूटरीवेल्यान कॉलेजांत पावयता. हो फोटो आमी आग्रयाक हनीमूनाक गेल्लीं तेन्नाचो. व्हॉट ए लव्हली फोटोग्राफ ! माला फोटोजिनीक चली. सुरेश, दिवो पेटय. म्हाका दुसऱ्यो स्लायडी मेळनात.

(उजवाड जाता. ऑफिसांतलोच देखाव. सुमन फोनार घोवा-कडेन उलयता.

सुमन : परतो विजय. मालाक खंय ॲक्सीडंट जालो. नरेंद्र ताका स्कूटरीवेल्यान कॉलेजाक व्हरतालो. अवचीत वाटेर खंय एके धांवते जिपीच्या रोदांत मालाचो पदर घुसपलो. आनी तें भोंवऱ्या भशेन घुंवन रस्त्यार पडलें. फाटल्यान एक ट्रक येतालो तो ताच्या पायावेल्यान गेलो. पांय वाटावपाक दोतोर खंय भूंय–मळब एक करतात. पुणून आस्त ना खंय. चार एप्रीलचें पत्र हें. पुण्यांतसून बरयलां. त्याच दिसाचो पोस्टाचो छाप आसा. हय, तोच. विजयूच. अक्षरूय तेंच. म्हाका भिर-भिरी माल्ल्या ताची. कोण हो मनीस ? असल्योच खबरी बरोवन कित्याक हो म्हाका पिडटा ? कसलें सुख मेळटा काय ताका ? सुरेश, ताका कांयच उपाय ना ? कितें ! जस्ट इग्नोर हिम ? हाव केन आय ! पयलीं म्हजें आयक. ऑल राइट, ऑल राइट. पुणून पयलीं मालाची खबर मेळोवंक जाय. तेमेरेन कांयच उलोवप ना. ना, हांव विजयाची खबर कोणाक सांगीच ना. नो, आय वूड नॉट. (सुमन बसता.)

(बॉस ऑफिसांतल्यान आपल्या कॅबिनांत वता. वतना सुमनाच्या मेजाकडेन उबो रावता.)

बॉस : मिसेस कामत, हे साडयेंत यू लुक चार्मिंग.

सुमन : (हांसता) हांवें मंथली स्टेटमॅन्टस् तयार करून मेजार दवल्ल्यात. त्या भायर जपानाक धाडपाचें पत्रूय तयार करून दवल्लां.

बॉस : शाबास ! थँक यू. अर्दवरा उपरांत येवन व्हर तें सगळें.

सुमन : थँक यू सर. (बसता. काम करपाचो यत्न करता. इतल्यांत मिस फर्नांडीस भितर सरता. खूब फॅशनेबल.)

मिस फर्नांडिस : हाउ डू यू डू सूमन ? भुरगीं बी बरीं आसात मूं ?

सुमन : आसात सगळीं बरीं. तुका सांगचें, काय कितें समजना. पुणून—

मिस फर्नांडिस : येनी न्यूज फ्रॉम फ्रेन्डस् ?

सुमन : कितें सांगचें समजना. म्हाका रडूंक येता. हांगां ह्या मेजारूच पोटभर रडचेशें दिसता. जांकां हांव म्हजीं लेखतां तांकांच अँक्सिडेन्ट कित्याक जाता समजना. म्हाकाच हें सगळें कित्याक भोगचें ? कसलीं पातकां केल्यांत हांवें ? कित्याखातीर म्हाका ह्यो ख्यास्ती भोगतात ?

मिस फर्नांडिस : डोंट वरी. एव्हरी थींग व्हील बी ऑल रायट.

(फोन येता. श्रीकांत घेता.)

श्रीकांत : मिस्टर कामत उलयता.

सुमन : कितें सुरेश ? माय गॉड ! म्हणटकूच खरें तर सगळें ... आनी कितें बरयलां ? विजया संबंदान कितें आसा ? (रडटा आनी फोन दवरता.)

मिस फर्नांडिस : कितें जालां सुमन ? रडूं नाका. रडूं नाका माय डियर.

सुमन : म्हजे एके इश्टीणीक अक्सिडॅन्ट जालो.

मिस फर्नांडिस : ओ ! नो. डू यू वॉन्ट टू सी हर ?

सुमन : ना. म्हज्यान पळोंव नज जातलें. म्हाका भंय दिसता.

(उजवाड सात खेपे पालवता. सात दीस जातात. देखाव तोच. सुमन ऑफिसांत भितर सरता. मेजा म्हऱ्यांत वता. मेजार एक पत्र आसा. पत्र हातांत घेता. वळखता. विजयाचें पत्र. पिंदून उडोपवाचो यत्न करता पुण पिंदिना.)

सुमन : श्रीकांत, तुका पुलीस स्टेशनचो नंबर खबर आसा ?

श्रीकांत : एक मिनीट. (फोनाची डिरेक्टरी हातांत घेता)

सुमन : पोस्ट मास्टर जनरलचोय नंबर सोद.

श्रीकांत : बरें. . .

सुमन : आनी हें पळे श्रीकांत, अक्षरावयल्यान मनशाक वळखून काडपी कोणून एक्सपर्ट ना हांगां ? हांगा ना जाल्यार मुम्बय बी आसतले. कोणायचेंय नांव मेळटा जाल्यार पळे.

श्रीकांत : बरें, पळेतां.

सुमन : सुरेशाच्या ऑफिसाचो मातसो नंबर लावन दी.

श्रीकांत : लायतां. (डिरेक्टरी पळेता.)

सुमन : तें दवर मातशें आतां. पयलीं हो नंबर लावन दी.

श्रीकांत : (डिरेक्टरी सुमना मुखार दवरून) हो पोलीस स्टेशनचो नंबर आनी हो पोस्ट मास्टर जनरलचो . . . अक्षरा वयल्यान मनशाक वळखून काडपाची म्हाका दिसता पुण्यांत व्यवस्ता आसा.

सुमन : थँक यू. पयलीं फोन लावन दी.

(सुमन लाखाटो हातांत घेता. फोडचो काय न्हय हचा दुबावान आरतो परतो करता. आनी मागीर पिंदता, दोन कुडके करता आनी वेस्ट पेपर बास्केटांत उडयता. मेजावयल्यो फायली हेवटेनच्यान तेवटेन करून काम करपाचो यत्न करता. मागीर अकस्मात बास्केटांतले कागदाचे कुडके काडटा. परते बास्केटांत उडयता, परते काडटा. आनी ताचे चार कुडके करता. अर्द मिनीट वोगी रावता आनी मागीर चारूय कुडके दाळून पळेता.)

सुमन : श्रीकांत, तूं सिगरेट ओडटा ?

श्रीकांत : (लजिल्लेवरी) ऑफिसांत ना.

समन : बोलसांत फस्क आसा ?

श्रीकांत : हय.

सुमन : दी पळोवया मातशें.

श्रीकांत : (बोलसांतलें फस्क काडून दिता) कित्याक जाय आशिल्लें ?

सुमन : हें पत्र लासून उडयतलें म्हणटां.

श्रीकांत : कोणाचें तें ?

सुमन : मरण्याचें ! फोंडयाचें !

श्रीकांत : आय एम सॉरी.

(श्रीकांत सुमनाच्या घोवाक फोन लायता. सुमन फस्काची काडी पेटयता. पुणून कागदाक उजो लायना. पेटिल्ली काडी हातांत घेवन बसता.)

श्रीकांत : (फोन सुमनाक दिवन) मिस्टर कामत.

सुमन : (फोन घेता) परतें तांचेंच पत्र. विजयाचें. आज सोमार.

सोमारा सोमारा पत्रां धाडपाचो नेम केला जातलो ताणें. ना–अजून वाचूंक ना. वाचपाक मन जायना. कितें म्हळें ? ताचें कारण अशें. हांव जाणां, सोमाराक तूं खूब बिझी आसता. पुणून तशेंच कितें आसल्या बगर हांव फोन कित्याक करतलें ? अजून वाचूंक ना. ना. आय वोन्ट. कित्याक वाचतलें ? पुण हांव तुका विचारतां, तूं ह्या संबंदान कितें करपाचो आसा काय ना ? ना. ऑब्जेक्शनल तो कांय बरयना, पुण जें बरयता तें भयंकर आसता. तें खरें आसता. हांव नकळ. कित्या खातीर तो म्हज्या जिवाकडेन खेळटा ? ऑल राइट. म्हाका तशें कांय जावंक ना. हांव जाणां, आमच्यानीं कांय करूंक जावंचे ना म्हुण. पुणून हुसको जाता, भंय दिसता. हे खेपे कितें बरयलां कोणाक खबर ! कितेंय तरी कर. प्लीज. नाका. तूं हांगां येवंक नाका. हांवूच येतां पत्र घेवन. (फोनार उलयतां उलयतां मेजार पिंदिल्लें पत्र सारकें करता आनी सट्ट करून वाचता.) माय गॉड ! (किळांच मारता) सुरेश, भयंकर खबर (रडटा.) सुभाष मेलो– (घुंवळ येवन पडटा. श्रीकांत किळांच मारून धांवत सुमनाक सावरूंक वता. बॉस आनी मिस फर्नांडीस धांवत येतात. मिस फर्नाडीस सुमनाक सांवरून धरता. बॉस फोन घेता.)

बॉस : कोण उलयता ? ओ ! हय. मातसो शॉक लागला जातलो. तुमीं भियेवं नाकात. आमी पळेतात. ऑल राइट. येयात तर मागीर, प्लीज. ना. भियेवपासारकें कांय ना. शी इज ऑल राइट नाव.

सुमन : (बॉसाच्या हातांतलो रिसीव्हर घेवन)हांव बरें आसा सुरेश. कांय जावं ना. पुणून तूं जाता तितलो बेगीन यो.

बॉस : जाय जाल्यार घरा वचूं येता, मिसेस कामत.

सुमन : ना, ना. वचपाची कांय गरज ना. (फोनांत) तूं येता मूं ? टॅक्सीच करून यो. म्हाका घडये घरा व्हरचें पडलें–(फोन दवरता.)

बॉस : मिस्टर कामत पयलेच खेपे आमच्या ऑफिसांत येता न्हय ? येनी थींग सिरियस ?

सुमन : सुभाष म्हाका खुबूच आवडटालो. अ लव्हली बॉय (रडटा) ताका पोलियो जाल्लो. ताका हांव इंग्लीश हिस्टरी आनी जीयोग्राफी शिकयतालें. खुबूच स्मार्ट भुरगो. शार्प. ताचो बापूय आमच्या शेजरा रावी. सेन्ट्रल बॅकेंत ऑफिसर आशिल्लो ट्रांसफर जाल्ली. हो भुरगो भायर पडलो. (हुडक्यांनी रडटा.) म्हजो खूब जीव ताचेर. म्हज्या भुरग्यां परस चड. बापायची बदली जाली तेन्ना सुभाष म्हयनो भर रडटालो.

बॉस : तो पत्रां बरयतालो जावंक जांय.

सुमन : हय. पयलीं सप्तका सप्तकाक बरयतालो. म्हज्यो जापो मात ताका वेळार वच नाशिल्ल्यो. ही वॉज अ नायस् बॉय. (दोळे भरून येतात) सॉरी. म्हाका रडूंक येता.

बॉस : ओ ! हांव समजतां. यू. मेक गो होम टूडे. हांगा सल्ल्या कामाचो हुसको करूं नाका. (आपले कॅबिनेंत वता.)

मिस फर्नांडिस : म्हाका तुजो हुसको जावपाक लागला सुमन.

समन : सप्तका सप्तकाक वायट खबर दिवपी चिटयो येतात म्हाका.

मिस फर्नांडिस : जांव, पुण तूं हुसको करूं नाका. आयज घरा वच.

सुमन : सुरेश आयलो ? ताका केन्नाच असल्या गर्जालिचो हुसको जायना. म्हजोच हुसको चड ताका.

मिस फर्नांडिस : दादलो मनीस तो. दादलो मनीस कित्यानूच चड अिनव्होल्वु जायना.

सुमन : आनी भावनेंतूय केन्ना व्हांवन वचना. म्हजें तशें न्हय.

मिस फर्नांडिस : अशेंच आसता. दादलो मनीस घट काळजाचो बरो.

सुमन : म्हजें काळीज मेणाचें. पुण कितें करूं ? जायत्या फावटीं म्हाका म्हजीच लज दिसता. बेश्टयो चिंता करपाची संवय जाल्या म्हाका. सुरेशाक कितेंय सांगपाकूय भंय दिसता. आनी मागीर एकलें एकलें दिसपाक लागता.

मिस फर्नांडिस : हो पळे आयलो मिस्टर कामत.

(सुरेश भितर सरता आनी मिस फर्नांडिस वता.)

सुरेश : खंय आसा पत्र ?

(सुमन पत्र दिता. सुरेशाच्या तोंडाकडेन पळेता. सुरेशाचो सुमनाक धीरूय दिसता आनी भंयूय दिसता. सुरेश पत्र वाचता. तितल्या मजगतीं फाटलो पड्डो वयर सरता. आनी सुमन आनी सुरेशाक आमी तांच्या घरांत पळेतात.)

सुमन : कितें म्हणणें तुजें ?

सुरेश : म्हजें म्हणणें तुका सांगलें जाल्यार तुका तें मानचें ना.

सुमन : केन्ना केन्ना तूं म्हजी फकाणां मारिल्लेवरी दिसता.

सरेश : (हांसता) तूं सामकें पिशें. आनी पिशेंच तूं म्हाका आवडटा.

समन : कित्याक ? हांव मॅलो ड्रामॅटिक म्हुण व्हय ?

सुरेश : तुका घुंवळ येवंक नाशिल्ली ?

सुमन : त्याखातीर हांव तुका मॅलो ड्रामॅटिक दिसतां.

सुरेश : मॅलोड्रामाच तो एके तरेचो.

सुमन : खरें हांव पिशें ?

सुरेश : हय. आनीं म्हुण्णूच तूं म्हाका आवडटा.

सुमन : म्हळचार कितें ? म्हाका हीं पत्रां येतात आनी ताणें हांव दुख्खी जातां हाका लागून तूं म्हाका पिशें म्हणटा ?

सुरेश : न्हय, तूं दुख्खी जाता आनी तातुंतूच गुल्ल रावता. हांव तुजे सुवातेर आशिल्लों जाल्यार इग्नोर करतलों आशिल्लों. तूं विजयाच्या हातांतलें बावलें जालां. तो तुका खेळयता, भेश्टावंक पळेता. सत्याचो आधार घेवनूच. तुका भंय दिसचो, तुका इनसेक्युअर दिसचें ह्याखातीर तो वावुरता. आनी तूं तुज्यो सगळचो भावना ताचे सुवादीन करून मेकळें जालां.

सुमन : पुणून असल्यो वायट खबरी वाचून हांव थंय राव म्हणटा ? कशें जातलें हें ?

सुरेश : तूं वर्तमानपत्रां वाचून भियेता ? वर्तमानपत्रांतल्यान असल्यो जायत्यो खबरी येतात. त्यो कोण बरयता हें तुका खबर नासता. तरी आसतना तूं त्यो वाचता पुणून त्यो बरयतल्याचे

सुवादीन तू आपणाक करिना.

सुमन : तुजें अजाप जाता म्हाका. व्हडल्यो–व्हडल्यो गजाली तूं सामक्यो साद्यो–शो करून दाखयता. म्हाका विजयाचो खूब भंय दिसपाक लागला.

सुरेश : आनी भियेतलें म्हणपाचें ताका खबर आसा. तूं मनांत थाराय आपूण भियेंवचें ना म्हुण.

सुमन : आईचे बाबतींत दोतोरांचो रिपोर्ट कितें येतलो हाचो म्हाका हुसको जावपाक लागला. हे खेपे विजयाचें म्हणणें खरें जायना जाल्यार पुरो म्हणटां.

सुरेश : म्हाकाय तशें दिसता. (फोन वाजता. सुरेश तो घेता. अच्छा म्हणटा आनी दवरता)–मिस फर्नांडीसचो फोन. येता खंय तुका मेळूंक. (वचपाची तयारी करता.)

सुमन : वचूं नाका. तुजी म्हाका खूब गरज आसा. विजयाचें पत्र खरें जायना जाल्यार पुरो म्हणटां. तो बरयता तें सदांच खरें जाता म्हुण म्हाका चड हुसको जावपाक लागला.

सुरेश : म्हाकाय हुसको जाता. पुण विजयाचो न्हय. तुजे आईचो, तेय परस चड तुजो. (बेल वाजता.)

मिस फर्नाडीस : (भितर सरता.) कशें आसा तू सुमन ?

सुमन : म्हजी आई–

सुरेश : काल एक चीट आयल्या.

मिस फर्नाडीस : आई विशीं कळोवन ?

सुमन : हय. तिका कॅन्सर जाला खंय.

मिस फर्नाडीस : कॅन्सर ? आवय म्हजे ! पयलीं कांयच सिम्टम्स् दिसूंक नाशिल्ले ? कोणे बरयलां ? त्या विजयान ? ताका कशें कळ्ळें ?

सुमन : आमच्या कोणाय परस ती अदीक घटमूट आशिल्ली. घरचें सगळें पळेताली. बेसां–भाटां सगळें. कोणा कडच्यान कांयच घेनाशिल्ली . . . लंडनाक म्हजो भाव अॅडव्होकेट आसा. ताचे-कडल्यान लेगीत तिणे कांय घेतलें ना. परत्यो आमकांच सग-

ळयांक भेंटी धाडल्यात. केन्ना निकलेस, केन्ना मुदी, केन्ना तांदूळ, केन्ना नाल्ल.

मिस फर्नांडीस : तिका पळेल्यार तुका कितले दीस जाले ?

सुमन : पयरूच–म्हळचार वरसांतल्यान आमी दोन खेपो मेळूंक वतांत. केन्नाच कितें तिका जावंक ना.

मिस फर्नांडीस : मागीर तिका कॅन्सर जाला म्हणपाचें फट आसूंक जाय. दोतोरांक कळचे पयलीं ह्या विजयाक कशें कळ्ळें तिका कॅन्सर जाला म्हुण. (खिणभर थांबून) ही ताची चवथी चीट न्हय ?

सुमन : हय– पयली रूपासंबंदान बरयल्ली– मागीर मालाची खबर दिवन बरयली– त्या उपरांत सुभाषा विशींचीं. आनी आतां ही चवथी आई संबंदान. सगळचोच चिटयो वेगळे वेगळे कडल्यान बरयल्यात. सगळयोच खऱ्यो जाल्यात. पुणून म्हाका प्रस्न पडटा : म्हज्याच फाटल्यान कित्याक लागला तो ? हांवें कसलो पोटलो खाला ताचो ? कितें इबाडलां ? म्हाका कॅन्सर जाला म्हुण कित्याक बरयना ? जांचेर म्हजी माया तांचेरूच नेम कित्याक धल्ला ताणें ? कोण हो विजय ?

सुरेश : कोण न्हय तो. तो नाच. तो आसा फकत तुज्या भयांत. तूं तुज्यांतलो भंय काडून उडयशीत आनी ताच्या चिटयांक फस्का काडी पेटयशीत जाल्यार मागीर कोणूच आसचो ना.

सुमन : कितेंय जालें जाल्यार तूं सदांच म्हज्या म्हऱ्यांत आसतलो मूं ? म्हाका तुजोच धीर आनी तुजोच आधार.

सुरेश : तूं चिंता करूं नाका. हांव आतां कॉफी करून हाडटां. मागीर आमी मातशीं भोवंक वचूं या.

सुमन : म्हाका मातूय सोंसना जालां, हें सगळें जें घडटा तें . . . (सुरेश वता.)

मिस फर्नांडिस : सुरेश म्हणटा तें खरें. मातशे भायर भोंवन येयात. खंयूय भोंवन येयात. पिक्चरांक बी वचून येयात. टेन्शन आपशींच देंवतलें.

सुमन : हें निखटें टेन्शन न्हय. हो भंय. भेश्टावणी एक भुतावळ तो बरयता. त्या त्या वेळार म्हज्या काळजाक एक भालो तोंपता. म्हाका थरथरो भरता. कितें जातलें म्हाका कांयच सांगूक येना. (सुरेश कॉफी घेवन येता.)

सुरेश : आतां पुरो हें सगळें. आमी आतां विशय बदलुंया-ऑफिसांतली खंयचीय खबर, क्लबांतली... कशें चल्ला तुजें डांस स्कूल मिस फर्नांडीस ?

सुमन : विजय दुश्ट, पाडो मनीस. म्हाका हे भशेन पिडपाचो ताका मातूय हक ना. प्लीज सुरेश, तूं कितेंच उलयना कित्याक ? (उजवाड इल्लो इल्लो उणो जायत वता. सुमनाचीं निमाणीं उतरां काळोख पडटा तेन्नाच आयकूंक येतात. आमच्या लक्षांत येवचे पयलींच वेळ आनी देखाव बदलता. सुमनाच्या उतरावयल्यान हें समजता.)

सुमन : आईक इंग्लंडाक धाडूंया. थंय दादा आसा. अपटूडेट ट्रिटमेन्ट मेळटलो. तूं सांग आतां म्हाका. आमी सगळीं बरीं आसात मूं ? हांव बरें आसा मूं ? विजय म्हुण कोणूच मनीस ना न्हय? (काळोख)

सुरेश : ना. विजय म्हुण कोणूच ना सुमन–हांव तुका खात्री दिवन सांगतां. तूं भोळें, तुका कांयच समजना.
(काळोख जाता-दुसरो देखाव दिश्टी पडटा. सुमनाचें ऑफिस विचित्र आनी भेश्टावणें दिसता. त्या उपरांतचो सोमार. सुमन ऑफिसांत येता. श्रीकांत उठून गुडमॉर्निंग म्हणटा. सुमन मेजाकडेन वता. मेजार एक पत्र आसा. तें हातांत घेता, पळेता. म्हत्व नाशिल्लेवरी तें थंयच मेजार उडयता. पर्वा नाशिल्ल्याचो देखाव करता. काळोख जाता. त्या काळखांत एक व्हडलो लाखाटो–राखेसी लाखाटो स्टेजीर येता. त्या लाखाटांतल्यान धवी चादर माथ्यावयल्यान ओडिल्लो एक मनीस भायर सरता. इतल्यांत उजवाड जाता-आशिल्लें तशें ऑफीस दिश्टी पडटा. सुमन हातांत पत्र घेवन उबें आसा

दुसऱ्या हातान तकली घट धल्ल्या.)

मन : श्रीकांत, ५८९८०२. (श्रीकांत फोन लायता आनी तोंडान ५८९८०२ म्हणटा. ते म्हणसर सुमन लाखाटो फोडटा आनी पत्र वाचता. श्रीकांत रिसीव्हर सुमनाच्या हातांत दिता.)

मन : हॅलो, हांव तें. ना. आयचो सोमार रिकामो गेलो. पत्र ना. . . (फट उलयतना आडखळटा) अजून येवंक ना. येतकच करतां फोन (फोन दवरता.)

(काळोख आनी एक स्लायड. वयार आयिल्लें सुमन एका तरण्या भुरग्याकडेन पळोवन गोड हांसता अशें एक चित्र ते स्लायडीर दिसता.)

रेश : (हांसून) अच्छा ! तुवें ताजो फोटो अजून सांबाळून दवल्ला ?

मन : (हांसून) तूं हो फोटो पळोवन म्हजी फकाणां मारतलो हें हांव जाणां आशिल्लें.

रेश : म्हाका अजाप जाता. पुण एक बरें जालें गो. तुवें ताची खबर पयलींच सांगली. तें म्हाका लिपयल्लें जाल्यार खूब वायट दिसतलें आशिल्लें.

मन : हांव ताचेर खरेंच खूब प्रेम करतालें. म्हाका खूब आवडटालो तो. . .

रेश : ती पिरायूच तसली प्रेम करपाची. . .म्हाकाय एक दोन चलयो अशोच खूब आवडटाल्यो. . . ताका पप्पीलव म्हणटात. भुरगेपणां तीं. तुजो हो लव्हर लग्न बी जालो जातलो न्हय ? एक दोन भुरगींय जाली जातलीं ताका. (हांसता) घडये ह्या फोटयाची एक कॉपी ताणेंय सांबाळून दवल्ल्या जातली. . , . बायलेक तुज्यावेल्या प्रेमासंबंदान सांगलां जातलें काय कोणाक खबर !

(दोगांय हांसतात. स्टेजीर उजवाड जाता. सुमनाच्या हातांत एक पत्र आसा. तें भौन भौन वाचता.)

ॅास : (वतां वतां) आवयची कितें खबर मेळळ्या ?

मन : इल्ली इल्ली बरी जायत वता अशें दोतोर म्हणटा.

बॉस : कितें जालां ? टी. बी. ?

सुमन : न्हय. कॅन्सर.

बॉस : आर यू, श्योर ?

सुमन : तीन दिसां आदीं रिपोर्ट आयिल्लो. कॅन्सरूच म्हळां तातूंत.

बॉस : आय एम सॉरी. बेगीन बरी जातली. आय एम श्योर.

सुमन : थँक यू. (बॉस वता पुण रोखडोच लेसाक हात पुसत पुसत येता.)

बॉस : आयचो टायम्स पळेलो ?

सुमन : हय नवें बजेट आयलां. आमच्या धंद्याक मारक न्हय ?

बॉस : शेः परतो आमकां फायदो. लुसकान जालें जाल्यार कार्डबोर्डाक जातलें.पुणून फर्टिलायझरांत खूब जोडूंक मेळटलें. कार्डबोर्डाचो धंदो आतां बंद करचो म्हणटकच जालें. (मनापासून हांसता.)

सुमन : (हांसून) हें म्हज्या लक्षांतूच येवंक नाशिल्लें.

बॉस : ब्लावजाचो कपडो सुंदर. खंय घेतलो ? म्हज्या खातीर एक पीस हाडशीत ? (हांसता) बट डोन्ट टेल माय वायफ. (हांसता.) तूं हुसको करूं नाका. मम्मी विल गॅट वेल सुन (आपले कॅबिनीत वता.)

(सुमन विचारांत शेणलां. ताका खूब राग आयला. तें परतें पत्र वाचता. उजवाड मंद जाता. मागीर काळोख. तातूंत एक व्हडलो लाखाटो दिश्टी पडटा. लाखाटयांतल्यान एका मनशाची आकृति भायर सरता. ती उलयता.)

विजय : तुजो आदलो एक लव्हर सुधीर आपल्या इश्टांक तुज्यो खबरी सांगता. तुज्या रुपाची खूब तोखणाय करता.

सुमन : पुण म्हजें ताचेर प्रेम नाशिल्लें. एकूच खेपे आमी मेळिल्लीं. त्या उपरांत ताका कलकत्त्याक वचचें पडलें. म्हयन्या भरयांत हांव ताका विसल्लें लेगीत. परिक्षा लागीं पाविल्ली. खूब अभ्यास करचो पडलो. परिक्षेक हांव पयलें आयलें.

(लाखाटो वता. दुसरो येता. तातूंतल्यानूय तीच आकृती भायर सरता.)

जय : तुजो भाव महेश इंग्लंडांत नायट क्लबांतले एके हॉस्टेसीच्या मोगांत पडला. ताची नदर तुज्या बापायचे इस्टेटीचेर आसा (वता)

मन : पुणून महेशाखातीर आईन एक बरी चली पळोवन दवल्ल्या. तिका पळोवपाखातीर तो इंग्लंडच्यान मुद्दाम येवपाचो आशिल्लो. (तिसरो लाखाटो येता.)

जय : तुजो बापूय सिव्हील सर्विसींत व्हडल्या हुद्यार आशिल्लो. जायत्या बायलांकडेन ताचो संबंद आयिल्लो. तितल्यांकूय ताचेपसून भुरगीं जाल्लीं. तांतली एकली तुजी भयण आज कलकत्त्याक वचत ताच्या वांगडा नाचता. पत्तो घे. बी ५८ चित्तरंजन ॲव्हीन्यू, कलकत्ता १८.

मन : देवा म्हज्या ! (लाखाटो वता. दुसरो येता.)

जय : तुवें तरेतरेचीं पिसोळीं एकठांय केल्लीं. याद आसा तुका ?

मन : आनी हांव जेन्ना वेंगळया वेगळचा तरांच्यो साडयो न्हेसतालें आनी तरे तरेचीं फुलां माळटालें तेन्ना आई म्हाकाय पिसोळें म्हणटाली.

जय : वेगळया वेगळचा भेसांत तुवें आपले फोटे काडिल्ले ताचो एक आलबम आशिल्लो याद आसा ? तूं लग्न जालें आनी हो आल्बम विसल्लें. उपरांत ताचें कितें जालें खबर आसा ? ताच्यो तिसत्यो वादऱ्यो जाल्यो. (लाखाटो वता. दुसरो येता. उजवाड मात्सो वाडटा. लक्षांत येना असो. पुणून सॅट बदलता. सुमनाचें घर दिश्टी पडटा. सुमन–सुरेश हांच्या लग्नाचो धावो वर्सदीस. घर शृंगारलां. सोयरेधायरे आयल्यात. बोवाळ चल्ला. ह्या बोवाळांतूय विजयाचो आवाज स्पस्ट आयकूंक येता. ह्या आवाजाकडेन सुमनाचें सोडून कोणाचेंच लक्ष नासता.)

जय : मिस्टर डी क्रूझ तुका डान्स शिकयता. आनी तुजे स्टॅप्स् ग्रेसफूल अशें तो म्हणटा. मिसेस राव तुजे मुखार कांयच न्हय, अशें तो म्हणटा तेन्ना तूं भुल्लूस्ता. तो तुका फटयता. आपल्या

जाळच्यांत घुसपावंक पळेता. मिसेस राव परस बरी डान्सर जावपाखातीर मत्सरान तूं डी. क्रूझाच्या जाळांत घुस्पूंक लागल्या. मिसेस रावाकडेन डि. क्रूझाचे वांकडे संबंद आसा. पळोवपाचें आसा ? शेनवार आयतार कळंगूटच्या 'टुरिस्ट हॉटेलांत वचून पळे.

(सुमन आतां दिश्टी पडना. पार्टीत सामील जावपाखातीर साडी बदलुपाक भितर गेलां. काळोख जाला.)

विजय : तूं तुज्या बॉसाक जंटलमॅन लेखता. कित्याक काय म्हळचार तो तुज्या आंगार हात घालिना म्हणून. तो नपुसक. ताजे बायलेचो संबंद कोणाकडेन आसा खबर आसा ? शोफेर सांतानाकडेन. तिणें आपल्या परस ल्हान एका कॉलेजियनाक लेगीत आपल्या जाळांत घुस्पायला.

(उजवाड जाता. बुफे डिनर पार्टिचो देखाव.)

विजय : तुजी सुलभकाकी आपणाली धूव वसुधा सिनेमांत व्हडली हिरोइन जाल्या म्हूण व्हडपण सांगता–

(पार्टीचो देखाव.)

सुलभकाकी : सुमन खंय गो ?

सुरेश : साडी बदलूंक गेलां भितर.

सुमन : (भितल्ल्यान) एका मिणटांत आयलें. (येता.)

बॉस : लग्न जावन धा वरसां जालीं तरूय व्हंकल कशी दिसता तूं.

मिस फर्नांडिस : यू लुक चार्मिंग. (सगळींच ताळयो मारतात.)

सुमन : थँक यू ऑल. तुमी सगळीं आज आयलीं म्हुण उपकार तुमचे लग्न जावन धा वरसां जालीं हें खरेंच दिसना.

बॉस : मेनी हॅपी रिटन्स ऑफ द डे.

(मेजार प्रेझेंटस् पातळळ्यांत. तांचेकडेन सुरेशाचें लक्ष ओडटा

सुरेश : थँक यू सर.

सुलभकाकी : भुरगीं खंय ?

सुमन : आजोळा गेल्यांत– वसुधा कशें आसा ? खंयच्या फिल्मां काम करता ?

सुलभकाकी : एक आनी दोन ! डझनभर तरी कॉंट्रॅक्ट आसतले ताजे-कडेन. तुतींक एका हिस्टोरिकल फिल्मांत हिरोइनचो रोल करता.

विजयाचो आवाज : आपले धुवेचे फिल्म करिअरीविशीं ही व्हड-ल्यो व्हडविको सांगता. पुण आयक, तुजी धूव वसुधा हिजो एका कॅमेरामॅनाकडेन संबंद आसा. आतां ती ताका ब्लॅक-मेल करता आनी धा हजार रुपया मागता.

सुमन : वा ! सुषमा, तूं आयलें. . .खूब बरें दिसलें. तुजो म्हाका हुसको जाल्लो. कसो आसा आतां फ्लू तुजो ?

विजय : ही सुषमा कितें करता खबर आसा ? आपल्या देहाच्या नेटारूच नोकरी तिगोवंक पावल्या. आनी सांगूं ? ती श्रीकांता-कूय केन्ना केन्ना मजा मारपाक आपल्या घराकडेन घेवन वता.

सुमन : पीटर पळे व्हडले-व्हडले दोळे करून म्हाका पळेता.

पीटर : (रागार जावन) तुवें म्हाका स्कॉच दितां म्हुण उतर दिल्लें. हें कितें ? हें जीन. (सगळे हांसतात.)

सुमन : तुवें जीन ग्लास उबाल्लो ताका हांव कितें करूं ? हो तो ग्लास तुजो.

विजय : पीटराक व्यसन आल्कोहोलचें न्हय. नार्कोटीक्सचें आसा. (पार्टींत सगळीं एकामेकांकडेन उलयतात पुणून विजयाचोच आवाज रिकोर्डेड बुलेटिनाभशेन आयकूंक येता.)

विजय : हे ते तुजे शेजाऱ्याचे धुवेन ॲबोर्शन केलां. हो तो तुमचो इश्ट ताणें घर घाण दवल्लां. तुजो मामा व्यापारांत सत्य आसूंक जाय म्हुण खबरी सांगता. पुण ताजो पूत इम्पोर्ट लायसन्सां काळ्या बाजारांत विकता. हे ताची नोकरी वचपाची आसा. हे त्या डॉक्टरा आड कोर्टांत एक केस आसा. हो तो तुमचो कलीग ताका सिफ्लीस जाल्या. हो तो व्यापारी मटको खेळटा. बाय-लेच्यो वस्ती लेगीत होगडावन मेकळो जाला. ही ती किटी-किटीं करून हांसता तिचे दांत अडेचे. हें तें जोडपें डायव्होर्स घेवपाचें आसा. हो तो होमो. . .हो तो आपणाक स्वाभिमानी लेखता

पुणून नागडचा बायलांचे फोटे विकता. हे ताणें प्रोमोशनाखातीर बॉसाक आपणाली बायल दिल्ली.पार्टीक येवंक नात तांची खबर आयक. सिकेर पिसो जावपाकडेन पावला. दिवाळें फुकलां. दामूचें पार्टनराकडेन झगडें चल्लां. किसनाची भयण एका गुंडा वांगडा पळून गेल्या... कामतीक बायल बडयता... पारकाराची बायल चार वरसां पयली मेल्ली पुण तो खून आशिल्लो पारकाराचो निलूकडेन संबंद आशिल्लो... सुधा लेस्बीयन...
(सगळे एकामेकांकडेन उलयतात. एकाद दुसरें वाक्य मदीं मदीं स्पस्ट आयकुंकूय येता. उलोवणी सगळीं जेवणाखाणांचेर, कपडयांचेर. कांय कांय वेळार दादल्या-बायलांच्या संबंदाचेर-सुमन सगळयांक जाप दिता. मागीर सगळीं एकामेकांक हात दिवन एकामेकांचो निरोप घेतात. पार्टी सोंपता. इल्लो इल्लो काळोंख जाता आनी मागीर इल्लोइल्लो उजवाड जाता. तेन्ना सुमन एकलेंच सोफाचेर बशिल्लें आसता. इतल्यांत विजय येवन लागसारच्या कदेलार बसता. इल्लो उजवाड-चडसो काळोख. स्टेजीर फकत ती दोगांच आसतात.)

सुमन : हो विजय म्हज्या सगळचा सोयऱ्या धायऱ्यां संबंदान, म्हज्या इश्टामित्रां संबंदान वायट वायट तेंच उलयता-एकल्याय संबंदान तो बरें उलोवंक ना. पुणून अजाप म्हळचार ताणे सुरेशा संबंदान अजून एक वांकडें उतर सांगूंक ना. म्हज्या भुरग्यांचेर अजून हात घालूंक ना. बाकिच्या सगळचांच्या जिविताचीं बुरशेपणां ताणें म्हाका सांगल्यांत. म्हाका हात लाय नासतना म्हज्या काळजाचेर ताणें घाय घाल्यात.

(सुमन खर्शेत खर्शेत उलयता. काळखांत लाखाटयांचो एक कवळो सुमना म्हऱ्यांत येता. सुमन तो हातांत घेता. छातयेक घट्ट धरता.)

सुमन : विजय, तूं म्हाका सारको वळखला. म्हज्यो बारीक बारीक लागणुको तुज्या लक्षांत आयल्यात. म्हज्यो इत्सा, म्हज्यो वान्सा, म्हजे हावेस सगळचांचेर तुवें घाय घाल्यात, दुसऱ्यांचे

पिडेंत, दुसऱ्यांच्या दुख्खांत आनंद घेवंक तुवें म्हाका शिकयलां-तूं म्हाका, म्हज्या घोवाक, म्हज्या जिविताक आफुडना. पुणून हें जें कितें चोंय वर्सांन चल्लां तें सगळ बुरशेपण म्हाका दाखोवन म्हाका तुवें ताचें व्यसन लायलां. सांग, आनिकूय कांय खबरी सांग. म्हाका कुत्छत्रें कर; मत्सरी कर. हांव शाणें न्हय बरें न्हय. हांव उणाक, हांव हलकट. तुज्यो चिटयो येतकच म्हाका भंय दिसता. पुण तुज्यो चिटयो नासत जाल्यार म्हाका रितें-रितें दिसता. विजय, यो. म्हाका वेंगांत घे. हांव तुजें. तुजेर हांव प्रेम करतां. म्हजो विजय...

(उजवाड. देखाव सुमनाच्या ऑफिसाचो.)

मन : (ऑफिसांत येता.) आज सोमार न्हय रे श्रीकांत ?

ीकांत : हय.

(सुमन आपल्या मेजार वता. मेजार कितें सोदता. टायपरायटरा ांदा कितें आसा जाल्यार पळेता. कितेंच मेळना.)

ीकांत : कितें सोदता ?

मन : पीन– म्हजी पीन हांगाच खंय तरी दवल्लेली हांवें. बाय द वे म्हाका चीट बीट आयल्या ?

ीकांत : ना.

(सुमन काम करपाचो यत्न करता पुण ताची हालचाल अस्वस्त दिसता.)

ॉस : गुड मॉर्निंग.

मन : गुड मॉर्निंग सर.

ॉस : ह्या गिमांत खंय वचपाचें येवजिलां ?

मन : खंयच ना.

(बॉस वता. सुमन मेजार परतेंय कागद सोदता.)

मन : म्हाका एक चीट येवपाची आशिल्ली. आयलीच ना. फाटल्या सोमाराय येवंक नाशिल्ली.

ीकांत : फाटीं पोस्टाचो स्ट्रायक जाल्लो. ताका लागून सगळी गडबड जाल्या. कोणाकूच पत्रां वेळार मेळनात. (हांसता).

सुमन : तुका खातरी आसा मरे ? पोस्ट तुवें घेतिल्लें ?

(फोन येता. श्रीकांत फोन घेता.)

श्रीकांत : हॅलो, कोण ? हय हय. आजूच पोस्टांत घालीं. (रिसिव्हर सकयल दवरता.)

(काळोख, उजवाड. सुमन ऑफिसांत येता.मेजार पळेता. पत्र ना.)

बॉस : गुड मॉर्निग. आज बेगीन-शें येवप जालें !

सुमन : खूब काम उल्लां. तें सगळें आज सोंपोवचें म्हुण आयलां.

बॉस : खूब कॉन्शियन्शियस तूं. (आपले कॅबिनेंत वता.)

(परतो काळोख, परतो उजवाड.)

सुमन : पत्रांच कशीं नात ? काय कोण चोरता ? पुण चोरतलो कोण ?

मिस फर्नांडिस : एकलें एकलें कितें उलयता तूं ?

सुमन : पीन सोदतां हांव.

मिस फर्नांडिस : पुण त्याखातीर इतलें सीरियस कित्याक जावंक जाय ?

सुमन : भांगराची ती.

(काळोख. उजवाड जाता. तेन्ना सुमनाच्या घरांत सुमन हांतुणार आडवें पडिल्लें दिश्टी पडटा.)

सुमन : म्हणटकच तुवें पत्रां बरोवपाचें सोडून दिलें तर. चोरा, तुजो कसलो पोटलो खाला हावें ? कित्याक बरयना ? कित्या खातीर तूं म्हाका पिडटा ? कित्या खातीर तूं म्हाका छळटा ? कितले सोमार जाले, एकूय पत्र ना. पत्रांबगर म्हाका जेवण रुचना—दोन दीस जाले तकली उसळटा. न्हीद पडना. कितें जाय तुका ? कित्याक बरयना ? सांग म्हाका. कितेंय तरी सांग खबरी सांग. पुण म्हाका छळूंक नाका. तूं म्हाका जाय, माय डार्लिग, खूब जाय.

(उलयतां उलयतां सुमन न्हिदता—काळोख. मदीं मदीं तरेक तरांच्या रंगाचो उजवाड जाता. गुपाट काळोख.मागीर इल्ले इल्लें उजवाडटा. सुमन हांतुणावेलें उठ्टा. ताजेतवानें दिसता

वेगळेंच. नवें ताल्ल दिसता.)

सुमन : (जांबय दिवन) ओ माय गॉड! उठपाक कळाव जालो. (एक पद गुणगुणटा आनी टॉयलेटीकडेन वता.)

(सुरेश येता. हातांत एक बॅग आसा. सुमन टॉयलेटींत गेलां म्हुण टॉयलेटी म्हऱ्यांत येवन ताका उलो मारता. भितल्ल्यान शॉवरचो आवाज आयकूंक येता.)

सुरेश : सुमन, हांव आयलों पळे. सुमन, तूं शॉवरा सकयल कितें करता?

सुमन : आत्तांच उठलां. (हांसता)

सुरेश : तातूंत हांसपासारकें कितें आसा ?

सुमन : तूं विजयाक वळखता न्हय ?

सुरेश : कोण विजय ?

सुमन : तो म्हाका पत्रां बरयतालो तो.

सुरेश : ताचें कितें जालें ? आनीक पत्र आयलें काय कितें ?

सुमन : ना. ताणें बरोवपाचेंच बंद केलें.

सुरेश : पुण ताका कितलेशेच म्हयने जाले.

सुमन : ना. त्या उपरांतूय ताणें पत्रां बरयल्लीं... पुण हांवें तुका दाखोवंक नाशिल्लीं तीं. तुजो भंय दिसतालो म्हाका. हांव नाटकां करतां अशें तूं म्हणटलो म्हुण हांवें तुका सांगूंक नाशिल्लें. (टॉयलेटींतल्यान केंस पुशीत पुशीत भायर येता.)

सुरेश : म्हणटकूच आतां कितें जालां. ?

सुमन : (हांसत हांसत) ताणें सगळयां संबंदान बरयलें. पुणून म्हज्या संबंदान, तुज्या संबंदान एक वांकडें उतर ताणें बरोवंक ना. म्हाका भंय दिसतालो. तो आमचेर घाय करतलो म्हुण.

सुरेश : मागीर कितें जालें ?

सुमन : मागीर म्हाका ताच्या त्या पत्रांचें व्यसन लागलें.

सुरेश : आतां ताणें पत्रां बरोवपाचें बंद केलां म्हणटकूच हांव ताका बरोंव तुका पत्रां बरयत राव म्हणून ? म्हजी बायल तुज्या पत्रांक हुसकेता, तीं येतकच तिका बरें दिसता अशें कळोंव?

सुमन : शे (हांसता.)

सुरेश : मागीर ?

सुमन : तो म्हाका आफुडनाशिल्लो. पुणून भितल्ल्यान तो म्हाका बदलतालो. म्हज्यांत एक वायट, उणाक बायल निर्मुपाक तो वावुरतालो. दुसऱ्यांच्या वायट खबऱ्यांत आनंद घेवपी, दुसऱ्यांच्यो पिडा पळोवन खुशालभरीत जावपी, दुसऱ्यांच्यो चाडयो आयकून भितल्ले भितर नाचपी अशी एक बायल तो म्हाका करूंक सोदतालो.

सुरेश : मागीर कितें जालें ?

सुमन : हांव ताच्या जाळांत घुसपलें. ताणें बरोवपाचें बंद करीत पसून म्हजी न्हीद ना जाली.

सुरेश : पुण तुवें म्हाका हें केन्नाच सांगलें ना.

सुमन : सांगूंक ना. आतां सांगतां. आतां हांव ताच्या जाळांतल्यान सुटून भायर आयलां. मेकळें जालां. (हांसता.)

सुरेश : थँक गॉड ! बरें जालें.

सुमन : हांव आतां सामकें मेकळें जालां.

सुरेश : पुण सांबाळून. व्यसनां अशीं सप–सप सुटनात. मनीस व्यसनां सोडिना.

सुमन : जाणां . . . पुण हांव मनीस न्हय.

सुरेश : मनीस न्हय जाल्यार कोण तर तूं ?

सुमन : (दोनूय हातांनी पाखांचे ॲक्टिंग करून) कोण सांगूं ? हांव पिसोळें ! पिसोळें ! !

(दोगांय हांसतात आनी पड्डो पडटा.)

लीग

संवगां

अंजना : २५-२६ वरसां पिरायेची चली–केसांचो बॉब कट.

प्रकाश : २०-२१ वरसां पिरायेचो भुरगो.

x अंजना आनी प्रकाश ह्या नांवांबदला नाटकुल्यांत वांटो घेतल्यांचीं खरीं नांवां घेवपाक हरकत ना. *x*

(पड्डो वयर सरता. अर्दार पावपाक थांबता. पड्डो वयर
ाडपांत ताकतीक जाली काय कितें असो दुबाव येता. पड्डो इंचभर
कल देंवता. स्टेजीर उजवाड. एका फॅशनेबल फ्लॅटांतलो- ड्रॉइंग-
म . अंजना काचाबूल जावन कितें तरीं सोदता. . .)

नाउंसमेन्ट :

‘ भावांनो आनी भयणिनो, नाटक आतां थोडयाच वेळांत सुरू
ातलें. उपकार करून जण एकल्यान. . . (अनाउंसमेन्ट मदींच
ांबता. पड्डो पुराय वयर सरता. अंजना अजून सोदीत आसा.)

ंजना : (पड्डो वयर सरिल्लो पळोवन अजापान) आरेच्या ! पड्डो वयर सल्लो ? (प्रेक्षकांक) आय एम् सॉरी . . . नाटक आतां थोडयाच वेळांत सुरू जातलें. (काचाबूल जावन) अं. . अं. .. तुमचे कडेन-कोणाकडेंन लीग आसा व्हय, लींग ? . . .म्हजें खंय शेणलें कोण जाणां. . . ! मेळच ना. मातशें. . .नाटक सोंप-सर. . .मागीर परतें करतां. म्हजें सोदपाक हांवें आतां वेळ होगडायलो जाल्यार नाटक उसरां सुरू जातलें आनी तुमकां घरा वचपाक कळाव जातलो. म्हजे हे केंस . . . पळेल्यात ? हेवटेन तेवटेन उबत रावतात. हरशीं, रबर-बॅण्ड, बकल कितेंय चलतालें. पुणून इट वोन्ट सूट माय रोल. . . आयच्या नाटकांत म्हजो जो रोल आसा, यु नो, आय् एम् सपोज्ड टु बी अ गर्ल वीथ अ हॅरपीन . . . एक आसा ही पळेयात (दाखयता) पुणून हे व्हटेंन लावपाक दुसरें लीग जाय. (परतून सोदता) कांय नज . . .मेळटलें. डायरेक्टर अरेंज करतलो . पुणून . . . तुमकां उशीर जायत म्हुण म्हणटां : आसा व्हय कोणाकडेन अेक लीग ? एकूच जाय. (लोकांकडेन खीणभर पळेता . . . रिस्पोन्स ना) लीग म्हळयार . . . कळ्ळें ना तुमकां ? आय् मीन हॅरपीन . . .

केंसांत घालतात तें म्हळयार? (केंस अेकठांय करून फाटल्यान सोड्टा) म्हजे केंसूय म्हुण, डायरेक्टरा सारके. ताळतंत्र नाशिल्ले. (परतून सोदता. मेज, कदेल, कॅलॅण्डर बी सांसपिता. आनी मागीर पुरो जावन घबांयच करून एका कदेलार बसता. मेजावयलो खड्डो हातांत घेता आनी वाचता ... प्रेक्षकांकडेंन पळोवन :) जावं, तों मेरेन म्हजें भाशण पाठ करतां. (वाचता) म्हजे पसून तूं कितलोय पयस गेलो तरूय, राया, म्हजें मन उजवाडाच्या वेगान... म्हळयार, सेकंडाक एक लाख शांयशी हजार आठशें वीस मैलांच्या वेगान तुज्या म्हऱ्यांत येतलें, तुका वेंगायतलें... तुजो कीस घेतलें... पाड पडलें हांचें! असलें म्हुण चारचौगांत उलोवं येता? (खड्डो काडून मेजार दवरता आनी आपणाक भाशण पाठ जालां काय ना हें पळेता) "म्हजेपसून तूं कितलोय पयस गेलो तरी, राया, म्हजें मन उजवाडाच्या वेगान म्हळयार वराक एक लाख... च्यॅं...च्यॅं... चुकलें. मिणटाक एक लाख... वराक काय मिणटाक? (सकल सोदता) लीग खंय गेलें काय देवा? (हाताची घडयाळ पळेता) माय गॉड! नाटक केन्ना सुरू करतले काय हे? (विंगांत पळेता. अितल्यांत प्रेक्षकांतल्यान प्रकाश हातांत अेक लीग घेंवन स्टेजी म्हऱ्यांत येता.)

प्रकाश : अ ... स्क्यूझ मी मिस् (अंजनाचें लक्ष वचूंक ना) हें घे ... लीग.

अंजना : (खुशालभरीत जावन), मेळ्ळें? थॅंक गॉड. (मुखार घेवपाक येता. हात पावना) वयर येयात प्लीझ... (प्रकाश लीग बॉल्सांत घालून स्टेजीर वता.स्टेजीर पावतकूच बॉल्स सांसपिता.)

प्रकाश : (काचाबूल जावन) आरेच्या ... खंय गेलें? ... आतांच तर आशिल्लें ... अशें कशें जावचें? (बॉल्स सांसपिता)

अंजना : ओह! नो... शेणलें! म्हाका दुबाव मारिल्लोच.

प्रकाश : (बॉल्स सांसपिता) हातांत आशिल्लें. तुमचे हुजीर बोल्सांत घालां अजाप जाता!

अंजना : अुडी माल्ली न्हय तुमी वयर येवपाक, तेन्ना पडलें जातलें

प्रकाश : हय, तशेंच जालां जातलें . . . आय एम सो सॉरी . . . (सकल देंवपाक करता.)

अंजना : आरेरे . . . चल्ले तुमी ?

प्रकाश : हे थंय सकल पळेतां . . . खंय वतलें ?

अंजना : पुण थंय काळोख आसा न्हय हो ?

प्रकाश : हय . . . पुणून

अंजना : हांगा अुजवाड आसा . . . हांगा सोदात. अुजवाडांत सोदपाक बरें. (प्रकाश अजापान पळेता, आनी दोगांय हांसतात.) आसूं तें . . . ह्या लोकाक पळेयात, नाटक केन्ना सुरू जातलें ह्याची वाट पळेत बसल्यास, आनी अजून म्हाका एक लीग मेळना. खंय वतलें सोदूंक हांव ह्या वेळार लीग ? कोणाचोच गुन्याव ना ! हांव चवदा वरसां पिरायेचें आशिल्लें तेन्ना सावन लीग सोदतां. अजून मेळना. हें एक आसा (दाखयता) दुसरें मेळना. चवदा वरसांचे आशिल्लें, तेन्ना पसून ही खबर...अिमॅजिन्.. (प्रकाश काचाबूल जावन हेवटेन तेवटेन पळेता) पुणून अिट् वॉज सो नाअिस् ऑफ यू . . . तुमी पावले. आय् एम् टेरिब्ली सॉरी . , . तुमचें लीग शेणलें. तुमचें म्हळयार . . . आय मीन तुमचे घरकान्निचें.

प्रकाश : ना. ना . . . हांव लग्नूच जावंक ना. म्हाका घरकान्न ना.

अंजना : ओह ! गर्लफ्रेण्डाचें घेवन आयिल्ले ? . . . आय् एम् रियली सॉरी . . .

प्रकाश : ना. ना . . . म्हजेंच लीग अशिल्लें तें.

अंजना : (ताच्या केसांकडेन पळोवन) आय सी . . .

प्रकाश : (गोंदळटा) म्हजें म्हळयार . . . खऱ्यांनींच हांव नकळ म्हजे-कडेन खंयच्यान आयलें तें. तुमी लीग मागतात तें पळोवन म्हजो हात बोल्सांत गेलो. आय डोन्ट नो व्हाय . . . आनी लीग बोल्सांत मेळ्ळें. रीयली . . . म्हाकाय अजाप जाता तें खंयच्यान आयलें, कोण जाणा !

अंजना : फकाणां मारतात म्हजीं ?

प्रकाश : ना. . ना. . खऱ्यांनीच आशिल्लें लीग म्हजेकडेन . . . देवा-च्यान तर. तुमी पळोवंक नाशिल्लें ?

अंजना : (मोन्यांनी पळेत रावता) म्हज्यान ?

प्रकाश : तुमच्यान तर ! (खीणभर दोगांय एकामेकांकडेन पळेत राव-तात. अुपरांत प्रकाश लजेता आनी परतून आपली बोलसां सांस-पुपाक लागता)

अंजना : जावं आतां. शेणल्यार शेणुंदी. तुमी बसात. तुमी कितें घेतले . . . च्या काय कॉफी ? (प्रकाश हांसता) हांसतात शे ? बॅकस्टेजींतल्यान च्या, कॉफी जाय तें मागोवन हाडूं येता . . . आं . . . आं, समजलें. तुमच्या अिश्टांक थंय सोडून कांय घेवचे नात. अशें न्हय ?

प्रकाश : हांव नाटक पळोवपाक अेकलोच आयलां . . . बरें तर (दॆंवपाक करता)

अंजना : आरे . . . रे . . . रे . . . रे . . . चल्ले ? कित्याक ? ताकतीक कसली ? बसात न्हय एक दोन मिणटां . .

प्रकाश : वॅाट डु यू मीन ? हांगा ? स्टेजीर ? . . हे भाशेन ?

अंजना : नाटक सुरू जावंक ना तों मेरेन स्टेज आनी बॅकस्टेज हांच्यांत खऱ्यांनींच कांय फरक नासता. बसात तुमी मातसो वेळ.

प्रकाश : पुणून . . . पड्डो वयर सल्ला . . . (लोकाकडेन पळोवन) लोक बसून पळेतात. अिट लुक्स रिडीक्यूलस.

अंजना : अशे नर्व्हस कित्याक जाले तुमी ? लोक ते . . . तांचें कामूच बसून पळोवपाचें. ते आनी कितें करतले ? पड्डो वयर सल्लो म्हुण कितें जालें ? मेक यॉर सेल्फ होम. पुराय संवसार म्हळचार एक स्टेज . . . शेक्सपीयरान सांगलां, खबर ना ? बाय द वे, तुमचें नांव कितें ?

प्रकाश : प्रकाश.

अंजना : हांव अंजना, ग्लॅड टु सी यू. (अंजना हात मुखार करता. प्रकाश नमस्कार करता. प्रकाश रोखडोच हात मुखार करता.

अंजना नमस्कार करता. प्रकाश गोंदळून परतो नमस्कार करता.) नाटकाक अेकलेच आयल्यात तुमी ? फट. शेजारचे चलयेक घेवन आयल्यात जातले. (दोगांय बसतात.)

प्रकाश : म्हाका शेजार-बिजार कांय ना. अिन फॅक्ट हांव कालूच हांगा पावलां. हांगा कोणाक हांव वळखय ना ... पुण ... तुमच्या लिगाचें कितें जालें ? लोक वाट पळेंत बसल्यात.

अंजना : ते बसून रावतले. तों मरेन आमी थोडो वेळ खबरी करुंया. म्हाका, यु नो, अेका सारकें दिसता, हांवें तुमका खंय तरी पळेल्यात...रिलॅक्स...लोक माल्ले झक. हांवूय पयलीं लोकांक पळेतकच काँशयस जातालें. नर्व्हस जातालें. मागीर कळ्ळें. थोडो-सो-आत्मविस्वास पुरो. यु कॅन इग्नोर दॅम.. यू कॅन टेक दॅम फॉर ग्रांटेड. नाटक सुरू जातकूच ऑडियंसांत गुपाट काळोख करतात, कित्याक खबर आसा ?

प्रकाश : ना .. कित्याक ?

अंजना : ऑडियन्साक सदांच काळखांत दवरप बरें. (दोगांय मनस्पुर्वेक हांसतात) बरे.. आतां तुमची खबर सांगात. तुमी हांगासल्ले न्हय ?

प्रकाश : न्हय.. हांव कालूच हांगा पावलां.

अंजना : खंयच्यान?

प्रकाश : राऊरकेलाच्यान.

अंजना : ओह ! रूरकेला ?

प्रकाश : राऊरकेला.

अंजना : जाणां, राऊरकेला. हांव पावलां थंय. म्हजी एकली फ्रेंड थंय रावता... एय, तुमचें आडनांव कितें ?

प्रकाश : (खंयचेंय एक सांगचें)

अंजना : (खीणभर प्रकाशाच्या तोंडाकडेन पळेता. अकस्मात उठटा. मातशें फाटल्यान सरता आनी आरोप केल्ले वरी बोट करून) चोरा.. खरें सांग, तूं कोण ? हांव वळखलें तुका ... सांगूं चोरा, कोण तो ?

प्रकाश : (गर्भगळीत जावन अर्दो उबो जाता) हांव...

अंजना : (तेच पोझींत) तूं अंजना (बापायचें नांव आनी आडनांव घालून सांगचें) हिचो भाव प्रकाश (अमको अमको) खरें काय न्हय ? बुद्दू ... अंजना म्हजी फ्रँड ... ॲन इंटिमेट फ्रँड.

प्रकाश : खरें ...? पुणून हांव तुमकां वळखना.

अंजना : (खुशालभरीत जावन) खंयच्यान वळखतलो ? हांव तुमगेर पंदरा दीस रावन आयलां. तूं त्या वेळार हॉस्टेलांत रावतालो. मुम्बय हांव आनी अंजना चार वरसां एकाच क्लासांत शिकल्यांत. सदांच आमी एकठांय भोंवचें. लोकांनी आमकां पळोवन म्हणचें : अंजना स्क्वॅर चल्लीं, पळेयात.

प्रकाश : (अजापान) खरेंच ?... इटीस अ स्मॉल वर्ल्ड !

अंजना : इटीस अ स्मॉल स्टेज ... अंजू आतां कितें करता ? खंय आसता ?

प्रकाश : कलकत्त्याक. ताचें लग्न जाल्यार पांच वरसां जालीं... एक बेबी जालां.

अंजना : खरें ? (शेणिल्लेवरी) कशें दिसता काय आतां अंजू ! भाग्यवान तें. ताचो ॲड्रेस म्हाका दी आं. हांव ताका फाल्यां लेटर बरयतलें ... तें म्हाका...

प्रकाश : पुण ... तुमच्या ह्या नाटकाचें कितें जातलें ?... तुमी..

अंजना : तें तुमी-बिमी बंद कर. तूं म्हण (हांसपाचो यत्न करता). नाटकाचें कितें जातलें, म्हणटा ? म्हाका एक ज्योक येवजलो. एक खेपे एक सरदारजी लंडनच्या एका थियेटरांत नाटक पळोवपाक गेलो... कसलें नाटक, सांग. पडडो वयर सल्लो आनी...सोड. सामको हॉट जोक हो...पोजडो...एय, चोरा, लीग कोणाचें घेवन आयिल्लो ?

प्रकाश : खरेंच सांगतां, म्हज्या बॅाल्सांत तें लीग खंयच्यान आयलें, आय एम स्टील वंडरींग. तुमी..

अंजना : तुमी न्हय, तूं...प्लीझ.

प्रकाश : तुवें लीग आसा काय म्हुण विचाल्लें. म्हजे हात बोल्सांत गेले. बोल्सांत लीग. हांवें काडून पळेलें. खरेंच लीग आशिल्लें. म्हुण तुका दिवपाक आयलों. जाल्यार... हांगा पावपाक तें शेणलें. आतां म्हाकाय दुबाव येता, तें लीग आशिल्लें काय आनीक कितें काय म्हुण.

अंजना : आशिल्लें रे प्रकाश... हांवें पळेल्लें... पुणून तें कित्याक शेणयलें रे तुवें ? कित्याक रे पापया ?

प्रकाश : आय एम रीयली सॉरी.

अंजना : अशेंच्च घडटा सदां... कित्याक म्हुण समजना. हांव चवदा वरसांचें आशिल्लें. एक दीस हटाक पेटलें आनी केंस कापून घेतले... जालें. एक दीस लीग खंय तरी शेणलें. सोद, सोद, सोदलें. पुण..खंयच मेळ्ळें ना. हेवटेन केंस फर...फर... करून अुडपाक लागले. हांव एका मांडार गेलें. 'लीग आसा ?' विचाल्लें. पसरकार म्हणपाक लागलो : 'मातशें राव'. सगळी गिरायकां गेलीं, त्या अुपरांत पसरकार म्हज्या म्हऱ्यांत आयलो आनी म्हज्या गाला वयल्यान हात भोंवडावन म्हणपाक लागलो: 'बाय, लीग ना. रिबीन दिवं ?'... म्हातारो आनी... पोजडो. म्हज्या केंसांत ताणें बोटां घालीं. हांवें ताचे दोळे पळेले आनी भियेलें आनी थंयच्यान जें धांवलें, तें बद्द घरा... कितलेशेच दीस...

प्रकाश : (मेजावयलो खड्डो काडटा) ही तुजी स्क्रीप्ट ?

अंजना : (अजापान) हय... आं, राव. सारकें पाठ जालां जाल्यार पळे. (बोटान दाखयता) हांगासल्ल्यान... (प्रकाशाच्या तोंडाकडेन पळोवन नाटकांतलें भाशण म्हणटा:) "प्रकाश, म्हजो प्रकाश, राया, कांय खिणापुरतोच तूं म्हाका..."

प्रकाश : (गोंदळून) च्यॅं...च्यॅं...च्यॅं... प्रकाश न्हय, अविनाश... 'अविनाश, राया, कांय खिणापुरतोच तूं म्हाका...

अंजना : ओह ! सॉरी... "अविनाश, राया, तूं कांय खिणापुरतोच म्हाका मेळ्ळो... पुण सांगूं ? तुका खरें दिसचेंना... त्या

प्रत्येक खिणाक तुवें म्हजे ओले जमनींत कितलीं तरी बियां रोयलीं ... आतां थंय सपनांत फुलां फुलत आसतात... गुलाबी, जांबळीं, तांबडीं ... तूं गेलो पुण ... (आवेशान) म्हज्यापसून तूं कितलोय पयस गेलो तरी, राया, म्हजें मन उजवाडाच्या वेगान ... म्हळयार वराक एक लाख शांयशीं हजार ... "

प्रकाश : वराक न्हय सेकंडाक ... आरेच्या ! नाटकांतलेंय तुजें नांव अंजनाच ?

अंजना : हय ... ह्या नाटकांतल्या सगळ्यांची नांवां तांचीं खरीं नांवां ... ताका लागून अे-अिफेक्ट बरो जाता ... म्हळयार कितें समजलें ? तुका नाटकां-बिटकां करपाचो छंद- बींद आसा काय ना रे ?

प्रकाश : ना ... पुणून अे-अिफेक्ट म्हळयार कितें ?

अंजना : हांव खंय जाणां ? पुणून तुवें विचाल्लें तेन्ना, म्हाका एक ज्योक येवजलो. एक खेपे एक सरदारजी सत्री घेवन ...

प्रकाश : (मर्दीच) वल्गर ?

अंजना : (निर्शेवन) हय ... खूब हॉट. पुण ओरिजीनल. आयक, हालीं हांव सगळे ओरिजीनल अिन्डीयन ज्योक्स कंपाअिल करतां. एक बुक पब्लीश करपाचें आसा मनांत. पुणून .. ओरिजीनल ज्योक्सूच मेळनात हालीं. हिन्दुस्तानांत हरशीं पंचावन कोटी ज्योक्स आसात . आतां कितले जाल्यात ?

प्रकाश : साठां वयर पावले ...

अंजना : फॅमिली प्लॅनिंग करुनूय साठ कोटी जाले ! ... पुणून ओरिजीनल हार्डली वीस पंचवीस मेळटले. अशे तशे पन्नास तुजेंकडेन एकाद-दुकलो आसल्यार सांग, अेकनोलेज करतलें. पुणून चोरिल्लो नाका आं. स्ट्राअिकींगली ओरिजीनल जाय. फॉर एगझांपल (येवजून) एक खेपे म्हज्या एका फ्रेंडान म्हज्या हाताचीं बोटां पळेलीं आनी म्हाका विचाल्लें: 'तूं नाखटां कित्याक वाडयना ? हांवें म्हळें : 'धा बोटांचीं धा नाखटां

आसात, आनी खंयच्यान हाडूं ? (दोगांय हांसतात.)

प्रकाश : हांव भुरगो आशिल्लों तेन्नाची खबर. एक दीस आमच्या दाराची बेल वाजली. हांवें दार अुकतें केलें, पळे जाल्यार, 'कोयर' व्हरपीं मनीस आयला, हांवें म्हज्या बापायक अुलो मारून सांगलें जाल्यार बापूय सांगता, ताका विचार, 'कसो दिता काय' म्हुण . . ?

अंजना : ओरिजीनल न्हय . . . दुसऱ्याचो. (हांसून ताचे फाटीर धब्ब करून मारता) सांग, खंयच्यान घेतलो ? (प्रकाश हांसता) मज्जा मज्जा दिसली.

(हांगा जाय जाल्यार, आनीक एक दोन ज्योक सांगूं येतात.)

प्रकाश : आगो, पुण . . . तुजें लीग ?

अंजना : (साप विसल्लेले भाशेन, हांसून) खंयचें लीग ? (अजापान) आं . . आं . . . हाव साप्प विसल्लेलें (अवचीत गंभीर जावन) हांव तुका म्हजी खबर सांगतालें. कॉलेजांत आसतालें तेन्नाची खबर. एक दीस पिकनीक आशिल्ली. एके वेळेर. खेळ खेळ खेळलें आनीं धांवतां-धांवतां अकस्मात् एकल्या भुरग्याक आपटलें. बावडो घबांयच करून पडलो. धोंपर बी बावड्याचें झरकटलें. हांवें ताका हात दिवन अुठयलो आनी म्हळें: 'आय एम् सो सॉरी . . केंस दोळ्यार आयले आनी म्हाका तूं दिश्टी पडलो ना'. तर, तो म्हाका विचारता: केसांत लीग कित्याक घालिना ? ' हांवें म्हळें : म्हजेकडेन ना . . . शेणलें . . . तर तो म्हज्या दोळ्यांकडेन पळेत रावलो. मागीर म्हणूंक लागलो. चल यो. तुका कितें सांगतां. ' पयस व्हरून एका माडामुळांत म्हाका बसोवन सांगता : 'तुज्या दोळयांत समुद्र भल्ला.' ताचे वोंठ थरथरताले. हांवें कांयच जाप दिली ना. तर म्हणटा : 'तुज्या हांशांत सुर्याचो अुजवाड भल्ला.' हांवें म्हळें : 'म्हाका लीग जाय.' तर म्हणटा : 'हांव तुका अिन्द्रधोणू हाडून दितलों.' हांवे म्हळें: 'म्हजे केंस पळे, कशे अुबतात. ' तर म्हणटा: 'हांव म्हज्या हातान वाऱ्याक बांदून दवरतलों.' हांवें म्हळें: 'केंस

दोळयांर आयल्यार कांय दिश्टी पडना.' तर म्हणटा : 'हांव तुज्या दोळयांत सपनां भरतलों.' म्हजें आंग थर्थरूंक लागलें आनी कोण जाणा कसो, ताचो हात म्हज्या हातांत आयलो. (प्रकाशाचो हात हातांत घेता) म्हजे पांय गळळे. आवाज शेणलो आनी हांव ...(दोळयांत दुकां येतात. प्रकाश आपल्या बोल्सांतलो लेंस काडटा आनी ताचे दोळे पुसता.)

प्रकाश : नाटक तूं बरें करता .. खरेंच ! नाटकाचो प्लॉट कितें ? कोण कोण काम करपाचे आसात ?

अंजना : (रडकुऱ्या आवाजांत) तुवें अशें म्हळें म्हणटकूच म्हाका एक ज्योक येवजलो. (हांसपाचो यत्न करता.) एक खेपे एक सरदारजी कुतुबमीनार पळोवपाक गेलो .. (हुडक्यांनी रडूंक लागता.)

प्रकाश : (तिच्या खांदार हात दवरून) मागीर कितें जाता ?

अंजना : (दोळे पुसता. प्रकाशाच्या तोंडाकडेन पळेत रावता) तूं खंय रावला, प्रकाश ?

काश : एका अिश्टागेर .. फाल्यां एका हॉटेलांत वतलों.

अंजना : ना .. ना .. तूं तुजें सगलें सामान घेवन हांगा यो ...

प्रकाश : हांगा ? वॉट डु यु मीन ? स्टेजीर ?

अंजना : हय, हांगा .. कित्याक ? हांगा तुका अुपकरना ? जायती सुवात आसा. (सपनेल्ले वरी) हांगा आमी सकाळी उठून सदृदां कॉफी करुंया .. हे त्या मेजार बसून खबरी करीत करीत कॉफी घेवंया .. ट्रांझिस्टर लावन विविधभारती आयकुंया. पड्डे कुशीक काडून वाटे वयल्यान येतल्या-वतल्यांक पळोवंया. म्हयन्या-म्हयन्याक कॅलॆण्डराचें पान पिदुया .. तुका हांगा मानवचें ना ?

प्रकाश : मागीर ... मागीर, कितें जाता ? ... तुका भाशण पाठ करपाचें ना ?

अंजना : (पयस खंय तरी पळोवन) मागीर ... मागीर एक दीस कॉलेज सोंपलें ... एक दीस हांव एके बसींत बशिल्लें. बस

खंय ज्ञताली, हांवें खंयची तिकेट काडली ... म्हाका कित्याचीच सुद्द नाशिल्ली. जनेलांतल्यान हांव भायर पळेत बशिल्लें. फूटपाथ ... घरां ... मागीर माड ... लोक ... मागीर वेळ. म्हजे बगलेक बशिल्ल्या मनशान म्हळें:' तुजे केंस म्हाका डिस्टर्ब करतात.' हांव ताच्या तोंडाकडेन पळेत रावलें. ताचे दोळे तांबडे जाल्ले .. कपलार एक माव आशिल्ली. गळ्याच्यो शिरो थरथरताल्यो. म्हजें आंग शीर जालें. हांवें जाप केली ना. ताणें विचाल्लें : 'तुजेकडेन लीग ना ?' हांवें मान हालोवन ना म्हळें. तो म्हणूंक लागलो : 'चल म्हगेर... हांव तुका लीग दितां.' हांव ताच्या फाटल्यान चलत गेलें. ताच्या फ्लॅटांत कोण नाशिल्लो. दार भितल्ल्यान बंद करून ताणें म्हळें : 'लीग सोदचें पडटलें ... तों मेरेन तुका कॉफी करून दिवं ?' हांवें विचाल्लें : 'व्हिस्की वा तसलें कितेंय ना ? ताणें फ्रिज्यांतल्यान व्हिस्की काडली. थोडया वेळान म्हणपाक लागलो : 'चल, यो, बॅडरुमांत या... थंय लीग सोंदुया... घडयें मेळत... वरांची वरां... दिसाचे दीस लीग सोद सोद सोदलें ... म्हजे केंस अुबतच रावले (रडटा.)

प्रकाश : (थोडया वेळान) लीग जंय शेणलां थंयच सोदूंक जाय उजवाड आसा थंय न्हय... पुणून..! लीग नासल्यार रबर बॅण्ड उपकरना ?

अंजना : उपकरता... पुणून म्हाका जो रोल दिला ताका तें सोबना. आय एम सपोज्ड टु बी अ गर्ल वीथ अ हॅरपीन. (थोडो वेळ वोगी रावन) 'मुखार कितें जालें,' विचारिना ?

प्रकाश : हांव सांगतां. रात सल्ली. सकाळ जाली. वेन्टिलेटरांतल्यान सुर्याचीं किरणां दोळ्यांर पडलीं ... दोळे उकते जाले आनी मागीर लक्षांत आयलें. पळेल्लें तें फक्कत सपन आशिल्लें.

अंजना : ना..ना..ना.. मागीर दीस सल्लो, रात जाली. चोंयवसल्यान काळोख एकठांय जालो आनी सपनाक सुरवात जाली. एक आकांताचे मेज आशिल्लें.. चोंयवसल्यान आंकांताचीं कदेलां.

तांचेर माडा-माडा येदे ऊंच मनीस बशिल्ले. स स फूट लांब तांच्या बोटांत राखेसी इस्पिकेचीं पानां आशिल्लीं. येद्दया, येद्द्या व्हडल्या ग्लासां मजगतीं हांव मेजार पडिल्लें. धंग नासतना. म्हजो उपयोग अँश ट्रे जाल्लेवरी ते करताले. म्हज्या दोळयांत, नाखांत, केंसांत सिगरेटिचीं पोतेरां आनी गोबोर आनी फस्काक्काडयो भरिल्ल्यो. म्हज्या सगळया आंगार सिग-रेटी पालयताले. फास्ट ट्रेनिचो आवाज आयकला? तसल्या आवाजांत ते हांसताले. आनी त्या आवाजांत म्हज्यो किळांच्यो खंय जिरून वताल्यो, कोण जाणा. म्हजे ल्हंवे ल्हंवेंतल्यान रडें भायर सरतालें.. हांव एकलें... सामकें हॅल्पलेस... एकलें, हॅल्पलेस ... एकलें, हॅल्पलेस (हातांनी तोंड धांपता आनी मोटया मोटयान रडपाक लागता.)

प्रकाश : मागीर सपन सोंपता.. जाग येता आनी पड्डो पडटा...

अंजना : (कोडू हांसून) ना. .ना. . सपन सोंपता. . पुणून ताचीं पावलां उरतात. मावो उरतात. . (प्रकाश समजना जाल्ले वरी तोंडा-कडेन पळेता.)

प्रकाश : म्हळयार ?

अंजना : पळेतलो सपनाचीं पावलां आनी मावो ? हांगा यो. . हीं पळे. (ताका लागीं ओडटा. . पदर कडेक काडून ब्लाऊजांत भितर दाखयता.)

प्रकाश : (भियेवन किळांच मारता) माय गॉड !...

अंजना : पळेलीं ? वालीर फुलिल्ल्या फुलासारकीं ...

प्रकाश : (दोळे पिंदिल्ले ... भयान) कोणें ... कोणे केलें हें ? कित्याक ? ओह !

अंजना : (हांसून) आनिकूय मावो आसात. पळेतलो ?

प्रकाश : नाका . .नाका, प्लीझ. इटस् हॉरिबल. हांव जाणां केदी भयंकर कळ येता ती. हांव हॉस्टेलांत आसतालों तेन्ना सीनि-यर्स आमच्या हातांचेर पेटयल्यो सिगरेटी पालयताले. .रॅगींग... हांव जाणां ताची कळ. . आयस्स ! इट्स् टू मच. (ताच्याय

दोळयांत दुकां.)

अंजना : आरेच्या ! तूंय रडटा ? कोणें म्हळळें तें... द टीयर्स इन् द वर्ड आर अ कॉन्स्टन्ट क्वान्टिटी, फॉर ईीच वन हु बिगीन्स टू वीप समवॅर अॅल्स अनदर स्टॉप्स :, (हांसता) कोणें म्हळें हें ? गांगोन... पोझोन काय दीदीन ? दुकां तींच उरतात. फकत दोळे बदलतात, (थोडचा खिणां उपरांत) लीग अजून मेळना...तूं एक घेवन आयिल्लो. तेंय शेणलें... चल यो आतां, जंय शेणलां थंयच सोदुंया...

(दोगांय स्टेजीच्या एका कोनशाक वतात. अवचीत् काळोख जाता.)

अनाउंसमेंट : ' आतां थोडचा वेळान नाटक सुरू जातलें. उपकार करून जण एकल्यान आपापले सुवातेर बसचें... नाटक सुरू जाता... नाटक आतां सुरू जाता. (इल्लो इल्लो उजवाड वाडत वता) आतां नाटक सुरू जाता... (उजवाड. स्टेजीचेर मदीं अंजना हातांनीं तोंड धांपून उबें आसा...केंस उबतात...)

अंजना : (ओल्या आवाजांत) प्रकाश...प्रकाश, म्हज्या राया, थोडचा खिणांपुरतोच तूं म्हज्या जिवितांत आयलो. आनी म्हज्या मनाचे ओले जमनींत तुवें कितलिशींच बियां रोयलीं. .आतां थंय सपनांचीं परमळीत फुलां फुलतलीं. प्रकाश..तूं कितलोय पयस वचूं. म्हजें मन सेकंडाक कोटयांनी मैलांच्या वेगान (इल्लो इल्लो काळोख जायत वता) तुज्या म्हऱ्यांत धांवून येतलें ... तुका आफडून, तुका वेंगेंत घेवन परतें येतलें आनी मागीर हांव ताका तुज्या उगडासान म्हज्या काळजाचो गोंडो कशें सांबाळून दवरतलें. .ताचें काजळ करून दोळयांत भरतलें. फूल मानून माथ्यांत माळटलें.. हातांत धरून ताका पळेत रावतलें ... पळेत रावतलें... पळेत रावतलें.

(पडडो पडटा)

जाग

मोल रु. ४-००

आयचीं प्रकाशनां

प्रसादाफूल

तुळशी

गांथन

वेळेवयल्यो घुलो

आशाढपांवळी

बापू

भजगोविन्दम्

वासवदत्ता

पैगंबर

ओली सांज

अुजवाडाचे सूर

संशयकल्लोळ

सालोमे

सूड

स्मगलर

मुक्ती

फायचीं प्रकाशनां

अच्छेव

मोनी व्यथा

विराट

सांगाती

हिमालयांत